

मनसांज

चंद्रकांत नायक

1652
P-7 Dev.
CHA
833
Acc. No.

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★
Mangaluru

1652
P->Dev
CHA

[illegible]

मनसांज

(कविता संग्रह)

चंद्रकांत नायक

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
833
A/c. No.

राजाई प्रकाशन

मनसांज

(कविता संग्रह)

चंद्रकांत नायक

प्रकाशन क्र. 6

पयली आवृत्ती : 2006

© राजाई प्रकाशन

आमोणें, केपें, गोंय - 403 705

छापपी :
रूतू ऑफसेट,
वळवय, फोंडें, गोंय

मुखचित्र संकल्पना :
चंद्रकांत नायक

मुखचित्र सजावट :
गौरीश वेर्णेकार

अक्षरजुळवणी :
ज्योती गांवकार

प्रकाशक :
अवधूत आमोणकार,
राजाई प्रकाशन,
आमोणें, केपें, गोंय - 403 705

मोल : रू. 125/-

Mansanj

(Collection of poems)

Chandrakant Naik

Publication No. 6

First Edition: 2006

Gn, CHA ' P06

© **Rajaee Prakashan**

Amona, Kepem, Goa-403 705

Printer :
Rutu Offset
Volvoi, Ponda, Goa.

Cover Concept :
Chandrakant Naik

Cover Design
Gaurish Vernekar

Typesetting :
Jyoti Gaonkar

Publisher :
Avadhut Amonkar,
Rajaee Prakashan,
Amona, Kepem, Goa-403 705

Price : Rs. 125/-

833
WORLD KONKANI CENTRE

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001652

आवय तूं...
जिविताचे साणीर
चंदनावरी झरली
मळबाच्याकय व्हड जाली गे
मळबाच्याकय व्हड जाली !

म्हगेले आवयक ...

– चंद्रकांत नायक

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
133

मांडावळ

* प्रकाशकाचे वतीन /VI-VIII
* आयुश्यगीताची सुरावट /IX-XI
* अस्वस्थ मनाचे उमाळे /XII-XIV
1. हांव पयस पयस /1
2. दिश्टावो /2
3. अजाण /3
4. रूपडीं /4
5. कळी फुलताली /5
6. सपनांचीं पांखटां लावन /6
7. सपनां /7
8. मृगजळ /8
9. भाटकारालें शेत /9
10. जिर्तीं मर्डीं /10
11. आयुश्याचीं गितां शेणिल्लीं /11
12. नाच गो नाच /12
13. खीण /13
14. कुड्डो /14
15: दुसऱ्या अस्तित्वाचो सोद /15-16
16. पावसाच्यो सरी /17
17. कांटो /18
18. चार्फे /19
19. अणभव /20
20. आयुश्य रूख /21
21. आयज बुदवंत किल्लल्यांत वाठारा वाठारांनी /22
22. दर्यावेली सांज /23
23. नियतीची सांवळी /24
24. हांव येतां सदांच तुजे ओडीन /25
25. तरणाटी पिराय /26
26. मनशाचें रूप /27
27. मार्गस्थ प्रवासी /28
28. मनीस जगता /29
29. म्हाका सदांच दिसता /30
30. अमृताचे थेंबे /31
31. हांव एक अनामीक /32
32. पोरणें घर /33
33. योरे योरे मोगा /34
34. अर्जुना, आतांच तूं बाण मार /35
35. सैम /36
36. गोंयकारा, तूं जागो जा! /37
37. प्रश्नाची जाप /38
38. उद्ध्वस्त जालीं घरांदारां /39
39. देग /40
40. इल्लीशी वाट /41
41. भिरांत /42
42. वावझड /43
43. किर्ण /44
44. काजुलो /45
45. सोपूद /46
46. उज्याकीट /47

47. सांवळेक घर ना ! /48
48. जिणेचीं मुळां /49
49. म्हज्या घरामुखावेली वाट /50
50. जिवितार्चे व्हडें /51
51. हांव पिसो /52
52. गरीबी /53
53. गोंय म्हजें /54
54. भांगर चाफो /55
55. पोशांतलो थेंबो /56
56. गुन्यांव /57
57. रे मनशा /58
58. वास्तवाचो भार /59
59. सांकव /60
60. सपनफूल /61
61. मातयेंत आमच्या ना किर्ते /62-63
62. दर्शन /64
63. घुस्मट /65
64. उतराच्या सोदांत... /66
65. वसंत /67
66. आनी दार बंदच /68
67. गिन्यान /69
68. उजवाडाची शीम /70
69. भूंय आमची गर्भार रे /71
70. घराफाटली मेर /72
71. मनीस... /73
72. संवसार /74
73. येवजण /75
74. जुनेर /76
75. जीण /77
76. एकलो /78
77. जाण्टो /79-80
78. मार्ग /81
79. सुवार्थार्चे रान /82
80. पण्टी /83
81. चिंतन /84
82. फुडल्या जल्मात तरी! /85
83. कोण एकल्यार्चे जगप /86
84. पूत /87
85. भाटकाराली काज /88-90
86. ती बडी, एक फिनिक्स /91-92
87. हातावेलें मळब /93-94
88. तेन्ना बरयल्लीं मुळाक्षरां /95
89. श्रावण धारो /96
90. म्हजें उजवाडार्चे घर /97
91. हरे कृष्ण, हरे राम! /98-99
92. पडबिंब /100
93. एका रानाक वाट जाय /101
94. घावो /102
95. घोंटेर केन्ना बांदतली? /103-104
96. दिगंतर /105
97. फोंडकूल /106-107
98. मन जाल मळब /108

■■

प्रकाशकाचे वतीन

'मनसांज' ह्या कवितासंग्रहावरवीं आमच्या घरच्या आनीक एके व्यक्तीक, म्हळ्यार श्री. चंद्रकांत नायक हांकां कोंकणी साहित्य माचयेर 'लेखक' म्हण सादर करतना मन उपाट खोशयेन आनी अभिमानान भरता. आमच्या प्रकाशनाची निर्मिती आमी 2001 वर्सा आमची भयण आनी प्रकाशनाची एक वांगडी डॉ. जयंती नायक हांचें साहित्य उजवाडावपाच्या हावेसान केल्ली आनी तांचेंच साहित्य उजवाडणे पुरते आमी मर्यादीत रावतले अशेंय त्यावेळार आमी थारायिल्लें. पूण श्री. चंद्रकांत नायक हांचें हें पुस्तक उजवाडावप ही आमची लागणूक अशें आज आमकां दिसलें, देखूनच ते लागणुकेक व्हडा खोशयेन पाळो दिवंक आमी मुखार सरल्यात.

श्री. चंद्रकांत नायक म्हळ्यार, आमचे 'चंदूकाका'. नात्यान ते आमचे सख्खे काका न्हय, पूण कांय नातीं रगताच्या नात्यापरसूय अदीक लागींचीं आनी जिव्हाळ्याचीं आसतात. तीं जुळटात भावनांच्या एकचारांतल्यान, विचारांच्या सारकायेंतल्यान. चंदूकाकाचें आनी आमचेंय नातें अशेंच! आमच्या सारकेंच तांणी आमोणें गांवचेर... गांवच्या सैमाचेर... गांवच्या लोकांचेर उपाट मोग केला. आमच्या सारकीच तांच्या मनाची वार गोंयचे भुंयेत पुरल्या... आमच्या सारकोच तांचो कोंकणी भाशेचेर जीव जडला... आनी देखूनच ते आमकां सख्ख्यापरसूय चड सख्खे जाल्ले आसात.

चंदूकाकाचो जल्म केपें-आमोणें हांगा जाल्लो, पूण पिरायेचीं आठ-णव वर्सांच ते गांवांत रावंक शकले, उपरांत तांकां आपलें नशीब सोदूंक आपल्या सोयऱ्या-सांगातान मुंबय वचचें पडलें. थंय तांणी आपलें नशीब घडयलेंय बी, पूण तेखातीर तांकां भोव कश्ट उखलचे पडले - संघर्श करचो पडलो. आज विरार-ठाणें हांगा तांचो स्वताचो फोटो स्टुडिओ आसा, फ्लॅट आसा, संवसार आसा. एक फिशाल चित्रकार म्हुणूनय तांच्या वाठारांत तांकां नांव आसा. पूण इतलें सगलें मेळुनय, तें मेळोवपाखातीर आपल्याक आपलें गांवघर, भांवडां, सवंगडी, गांवची भूंय, मायभास ह्या सगळ्यांक परकी जावंचें पडलें, हाचेविशींची एक तीव्र वेदना तांच्या काळजाच्या तळाक दडिल्ली आसां देखूनच आज वयाची सत्तरी हुंपली तरी तांचें मन काळाच्या फाटीं वचून आपल्या भुरगेपणाच्या यादींनी रमता, आपल्या मनपटाचेर ते भुरगेपणांतलो गांव सोदतात. तांच्या मनाची कल्पना, तांणी ह्या पुस्तकाक बरयिल्लें मनोगत वाचल्यार सहजपणान येता.

आमच्या भुरगेपणांत चंदूकाका चड करून माया म्हयन्यांत गोंयांत येताले. आयले म्हणटकच मुजरत वेळ काडून आमगेर आमच्या आज्याक, बापायक, आवयक बी मेळूंक येताले. आमची कवृतुकान खबर घेताले, शिकपाविशीं विचारताले. आमी तेन्ना तांचे मुखार 'मुंबयचे काका' हे भावनेन पळयत अदबीन उबे रावताले. आमचें गांवठीपण तांचेमुखार उत्कें जावनये म्हण जतनायेन उलयताले. आमकां त्यावेळार खंय खबर, तांकां हेंच गांवठीपण मुंबयसावन गोंयांत वोडीत हाडटा म्हण!

चंदूकाकाचें आनी आमचें लागींपण जुळ्ळें तें गोंयांत राजभास आंदोलन चलतालें त्या वेळार, म्हळ्यार सुमार 1985 त. ते तांचे धुवडेच्या लग्न-कार्याक आयिल्ले. थंय लग्नाच्या माटवांत तांचे भौतेक सोयरे आशिल्ले ते मराठीवादी. जयंतीबाय ह्या वेळार युवा पिरायेची, तरी पूण राजभास आंदोलनांत सक्रीय सहभागी जाल्ली. काकाची धुवडी ती तांची इश्टीण, देखून ती तिचे लग्नाक गेल्ली. थंय तांकां लग्नाच्या माटवांत हाजीर पळयतकच त्या मराठीवाद्यांनी तांकां हिणसावंक सुरवात केली. तसो सदांच अतिशय संयमी आसपी काका बसल्या जाग्यावेल्यान सट्ट करून उठलो आनी तांणी कोंकणीमायेच्यो बकच्छायो करतल्याक आपल्या उतरांचो चोप दिलो. तांचीं तोंडां बंद केलीं. त्या दिसासावन काका जयंतीबायक तशेंच आमकांय खूब लागींचे जाले, तांचेविशींचो आमच्या मनांतलो आदर व्दिगुणीत जालो. काकाक घडये त्या प्रसंगाची आज यादय आसचीना. त्या वर्सा गोंयच्यान मुंबय परतताना तांणी सुनापरांताचे कांय पोरने अंक व्हेले, वाचूंक म्हुणून. उपरांत जयंतीबाय तांकां अदींमदीं कोंकणी पुस्तकां धाडूंक लागली आनी अशेतरेन तांचो कोंकणी साहित्य संवसाराकडेन संबंद जुळ्ळो.

चित्रकार ह्या नात्यान चंदूकाकान आपल्या पिशोलावरवीं जायत्यो रचना भुरगेपणासावन केल्ल्यो पूण लिखणेच्या माध्यमांतल्यान कोंकणींतल्यान अक्षररूपी पयली रचना तांणी केली ती गजाल यादींच्या गांठल्यांत गुंतून दवरपासारकीच. 1992 वर्सा जयंतीबायचें 'रथा तुज्यो घुडयो' हें आमोणें गांवच्या धालो-गितांच्या संकलनाचें पुस्तक उजवाडाक आयलें आनी ताची एक प्रत तांणी चंदूकाकाक धाडली. ती वाचून तांचें मन गांवच्या यादींनी एकदम उंचाबळींत जालें, भुरगेपणांत पळयिल्लो गांव तांच्या दोळ्यांमुकार उबो जालो. गांवचो लोक, गांवचो सैम, गांवच्यो धालो-फुगड्यो-शिगम्यामेळ सगळ्यांचो आवाज तांच्या कानांत घुमलो आनी तांच्या मनांतल्यो भावना अक्षरां जावन कवीतरूप घेवन कागदार अवतरल्यो. तांची ही पयली कविता उपरांत 'तशें म्हजें मन गोंयांत पावलें आनी गावंक लागलें...!' ह्या माथाळ्यान सुनापरातांत

उजवाडाक आयली. चंदूकाका मदल्या कविचो जल्म अशे नाट्यमय रितीन जालो.

कोंकणी भाशेचेर मोग आसा तेच प्रमाण जिवितार्ची इतकीं वर्सां जे भाशेन आपल्याक मायेचो शेव दिवन पोसवण केली, ते मराठीचेरूय चंदूकाकाची अजून श्रध्दा आसा. देखून तांणी मराठी भाशेंतल्यान कांय कविता बरयल्यात. कोंकणी तशेंच मराठी भाशेंतल्यान म्हण तांणी रचिल्ल्या कवितांचो आंकडो आज दोनशांच्या लागीं लागीं आसा. हालींसराक तांणी कोंकणींतल्यान कथाय बरोवंक आरंभ केला. तांच्यो कांय कविता 'सुनापरांत' तशेंच 'राष्ट्रमत' ह्या दिसाळ्यांच्या आयतारच्या पुरवण्यांतल्यान उजवाडाक आयिल्ल्यो आसात.

ह्या संग्रहांत चंदूकाकान बरयिल्ल्या वट्ट 98 कोंकणी कवितांचो आस्पाव केल्लो आसा. ह्या कवितांच्या दर्जाविशीं भौ. नागेशबाब करमली हांणी आपलें मत प्रस्तावनेंत बरयिल्लें असाच. नागेशबाबांचें भुरगेपण केपें-आमोणें वाठारांत गेलां. केपें वाठाराच्या इतिहासीक, समाजीक, अर्थीक स्थितीविशीं ते बरेतरेन जाणून आसात. केपें वाठारांतल्या लोकांविशीं तांकां खूब आपलेपण आसा. जिणेच्या सांजेपारार काय जायना, पूण ह्या वाठारांतल्यान आनी एक कवी जल्माक येता ही गजाल तांकां खोस दिवपी आसा हें आमी जाणात. आपल्या कामाच्या व्यापांतल्यान मुजरत वेळ काडून ह्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरयली आनी आपल्या कवितेच्या दर्जाविशीं साशंक आशिल्ल्या चंदूकाकाच्या मनाचें समाधान केलें देखून तांचे मनासाकून उपकार.

ह्या पुस्तकाच्या मुखचित्राची संकल्पना चंदूकाकाची, पूण ताका अर्थपूर्ण सजावट केल्या उदेंतो चित्रकार श्री. गौरीश वेर्णेकार हाणें. पुस्तकाची सोबीत अक्षर जुळोवणी केल्या श्रीमती ज्योती गांवकार हिणें, जाल्यार आपल्या समृध्द अणभवांतल्यान आकर्शक अशी छापणावळ केल्या रूतू ऑफसेट हांणी. ह्या सगळ्यांचे आमी काळजांतल्यान उपकार आठयतात.

आपल्या अणभव संपन्न जिणेच्या सांजेपारार मनांतल्यान उफाळून आयिल्ल्यो भावना आपले लिखणेच्या तोंकार पेलीत चंदूकाकान कागदार उतरायल्यात आनी ते वरवीं कोंकणी मायेच्या पांयार ओंपपाखातीर आपले श्रध्देचीं फुलां रचल्यांत. हीं फुलां वावळेर गुंतून आमच्या प्रकाशनावरवीं तांचो एक हार तयार करपाचो आमी यत्न केला. हो हार कोंकणी माय व्हडा खोशयेन स्विकारतली अशी आस्त आसा.

अवधूत आमोणकार

आयुश्यगीताची सुरावट

चंद्रकांतबाब नायक हो केपेंच्या आमोण्यांतलो. हांवय मूळ केपेंकारच. जे कुशावती न्हंयच्या मोगान चंद्रकांतबाब उत्फर्यांनी भरून वेता तेच कुशावती न्हंयचे तडीवयलो हांवय. पूण हांव हे न्हंयेवाठारापासून आज पयस आसलों तरी गोंयांतच आसां. चंद्रकांतबाब मुंबयकार जाला. आठ-णव वर्सांचे पिरायेर सावन. खरें म्हळ्यार हे भुरगे पिरायेर जो गांवांपासून पयस वेता आनी मुंबय सारख्या शारांत थंयचोच जाता, ताची आपणाल्या गांवांकडली ओड तशीच उरता अशें ना. पूण चंद्रकांतबाबाचे संबंदांत तशें कांयच घडलें ना. तो आपणालो गांव, थंयचें सैम, न्हंय, मनशां कांय एक विसरलो ना. आपणाली भास आनी तिची गोडसाण विसरलो ना. आपणालें भुरगेंपणांतलें गोंय काळजाच्या कुर्कुटांत जतनायेन सांबाळीतच तों मुंबय जियेता. केन्नाय गांवघरा येता तेन्ना तो थंयचें सैम दोळे भर-भरून नियाळटा. कुशावतीचें उदक तीर्थ म्हूण पियेता. तिचेच देगेर रावन चंद्रेश्वर-भूतनाथाक होरायता आनी भितरले भितर सुस्कारत रावता. परत मुंबय वचपाक भायर सरता तेन्ना तो उदास मनान परतेचे वाटेक लागता. ताचें जल्मभुंयेच्या मातयेवासान उपाट भरिल्लें मन ताका फाटीं ओडीत आसता.

चंद्रकांतबाबान आतां सत्तरी हुंपल्या. तो आपणाक कवी-लेखक बी मानिना. तरीपूण, गोंयचे भुंयेकडली ओड ताका अस्वस्थ करता आनी ताचें मन आपाप आपणाक कशें तरी उक्तावंक - अभिव्यक्त करूंक सोदता. काळजांतलीं उतरां ओंठार येतात आनी तांची एक कवित जाता. तो म्हण्टा -

‘हांव पयस पयस
जल्मभुंयेची नाळ
केन्नाच तुटिल्ली
आतां फकत उकतीं
दारां उगडासाचीं.’

चंद्रकांतबाबाक हांवें पळयिल्ल्याची वा ताका मेळिल्ल्याची म्हाका याद जायना. आमच्या साहित्यमळारय तो केन्नाय पावला - भोंवला अशेंय म्हाका दिसना. पूण एक संवेदनशील, मोवाळ-म्होंवाळ मन आशिल्लो हो मनीस ‘उगडासाचीं दारां उकतीं’ करून जे तरेन कवितेचो फॉर्म घेवन आमचे मुखार येता, ती खऱ्यांनीच भोव अप्रूप

अशीच गजाल. आमचें कोंकणी भाशेंत जें सामकें आंतरीक अशें एक नाजूक पूण सशक्त चुंबकीय तत्व आसा, ताणेंच चंद्रकांतबाबा मदलो कवी जागयला अशें म्हणूंक जाय.

चंद्रकांतबाबाचे हे 'मनसांजे'त ताच्या काळजाक साद घालपी सैम तर उपाट रूपान प्रगट जालाच. पूण तेच वांगडा, मनशामदली सर्वप्रिय आनी सोबीत अशी प्रेमभावनाय तो विसरूंक ना. अवती-भोंवतीचो संवसार नियाळटना मनांत उठिल्लीं सामाजीक जाणविकायेचीं ल्हारांय हे 'मनसांजे'चे देगेर येवन निशेल्लीं दिसतात. जिणेंतली गूढताय आनी तिची रूपांय हे कवितेंत मदें मदें भेट्टात. चंद्रकांतबाब जिविताच्या प्रवाहा एके कडेन 'आयुश्यगीत' अशें म्हण्टात. तो बरयता -

'तुवें येवचें
ल्हारांच्या तरंगांनी पेंवचें
पाचवे निळे पांखे जावन
उडटां उडटां सोनवतांत न्हावचें
वसंताक घेवन आयुश्यगीत गावचें.'

ह्या ओळींतल्यो शब्दप्रतिमा मुजरत लक्षांत घेयात. साद्योच खऱ्यो पूण एकतरेचें नीजपण उक्तावपी. 'आयुश्यगीत' जाल्यार मनाभोंवतणी भोंवर घालीत रावता. 'आयुश्यगीता'चे संकल्पनेकडेन जोडिल्ली आनीक एक कविताय लक्ष ओडून घेतले बगर रावना. चंद्रकांतबाब म्हण्टा -

'शिमेर उब्यो आसात
आनीक जिणो
वाट पळयतात म्हजी
तांचे जिणेचो अर्थ
तांकाय खबर ना
कारण
तांच्याय आयुश्याचीं गितां
शेणिल्लीं आसात
म्हजेसारखीं.'

मनशाकडेन अणभवाचें भांडार फक्त आसलेंच म्हणून उपकारना. तें तांच्या रंग-रूपांसयत उक्तें करून दाखोवपाचीय तांक आसची पडटा. चंद्रकांतबाब स्वताक कवी न्हय म्हणूं, पूण ते हे मन उक्तावणेचे कसवटेक तरल्यात.

'मनसांजे'तली बरीचशी कविता मुक्त छंद स्वरूपाची. अर्थात् तिचीय म्हूणन एक लय निश्चितच आसा. केन्नाकेन्नाय ही लय, कवितेक नकळटणाच शुद्ध गीताच्य पांवड्यारय व्हरून बसयता. देखीक 'नाच गो नाच' हो रचनेंतल्यो ह्यो कांय ओळी.

'शेवर्णी चानयो मोगाच्यो
रानपिराय तरणाट्यो
शेंपट्यो फुलयत
नाचतात गो, नाचतात गो.

गोरवां गेलीं रानां
पालय-चरोव पानां
उले मारीत राखणे
भोंवतात गो, भोंवतात गो.'

यादींच्या कुर्कुटांतलें गोंय, गोंयचें सैम, गोंयचे मातयेचो गंध चंद्रकांतबाबाक जितलो उल्हसीत करता, ताच्यांतली उर्बा जागयता, तितलीच आपणा भोंवतणची परिस्थितीय ताका अस्वस्थ करता आनी मागीर तो उंचाबळीत जावन म्हण्टा -

'आयज...
राम, कृष्ण, ख्रिस्त खंय आसात?
आरे,
ज्या खुरसाक खिळे मारिल्ले
ते रक्ताळिल्ले खुरीस
जळामळार उबे आसात, बेवारशी
ख्रिस्ताचे घावे मात
आजूनय ओलेच आसात.'

चंद्रकांतबाबाची कविता वाचले उपरांत ती जितली सैमाकडलें नातें उक्तावपी, संवेदनशील जावन भावुकतायेवटयां बाग घेवपी, तितलीच ती सामाजीक वास्तवाचेंय भान दवरीत जिविताचेर मोग·करपीय आसा हातूंत दुबाव ना.

'मनसांजे'क म्हजो मनस्पुर्वेक येवकार!

12 जुलाय 2006

नागेश करमली

अस्वस्थ मनाचे उमाळे

म्हजें मन पयलीं साकून अस्वस्थ. जल्म जालो गोंयचे मातयेंत. आठ काय णव वर्सांमेरेन गोंयचे भुयेंत श्वास घेतलो. आमोणेची जीण आनी प्राण आशिल्ल्या न्हंयेचें उदक तीर्थ म्हूण पिताली. न्हंयेच्या देगेर रावन भूतनाथ-चंद्रेश्वराचें दर्शन घेतालों. आजुनय गोंयांत आयलो जाल्यार पयलीं न्हंयचें उदक तीर्थ म्हूण आचमन करतां आनी दोंगरावेल्या भूतनाथ-चंद्रेश्वराचें दर्शन घेतां. एक निःश्वास सोडटा आनी परत उदास मनान मुंबयक येवपाक भायर सरतां. तर मन म्हजें अस्वस्थ अशाखातीर की जल्म गोंयचो आनी रावप मुंबयचें.

म्हज्या ल्हानपणांत हांवें गोरवां राखल्यांत. मट्टेर चरपाक व्हेल्यांत. चारां पुंजायल्यांत. उत्तम गांवकार आनी कितलेशेच भुरगे आमी सोण्णांनी खेळटाले. पावसांत गोरवांबरोबर भिजताले. एकामेकांक उलो मारताले. त्यो यादी म्हाका घट्ट आसात. हो वेटो सुटपासारखो न्हय. जयंतीबायचो (डॉ. जयंती नायक) बापूय नामू (श्री. नामदेव नायक) म्हजो आर्मीग. शंभू बोरकार म्हजो आर्मीग. प्रभाकर बोरकार म्हजो आर्मीग. आयज प्रभाकर ना. तो आनी हांव केप्यां इश्कोलाक वेताले. पाणटो हुंपून कोंडींतल्यान थेट इश्कोलाक वेताले. थंय लागींच एक कादय आसा. जमनीर बसप. पाटयेर मुळाक्षरां बरोवप. मेजार पांय पसरून बशिल्लो मास्तर आजून यादींत आसा. सांजेची पांचाची बस मडगांवा वटेन गेल्याबरोबर आमी सगले भुरगे भायर. रातीं दिवलेच्या उजवाडांत अभ्यास काय कितें तो करप. परवचा म्हणप. आयज कोण परवचा म्हणटा? आयज ती शाळाय ना, शाळेकुशीचो तो येदो व्हडलो रूखय ना.

म्हज्या ल्हानपणांत गोंय डांबरलें नाशिल्लें. आतां सगळे डांबराचे मार्ग. नामू आनी हांव त्या धुल्लान भरिल्ल्या तांबड्या तांबड्या मार्गार मोटारिच्या रोदांत बसून रोद धांवडयत खेळटाले. शंभू लजेतालो. बाप्पाचें भंय आसुये. बैलागाडयेर चेंपें घालून बशिल्लो शिमांव आजय दिसता. आतांय तो आमोणेचो मार्ग, तो तांबडो धुल्ल म्हज्या मनांत घर करून आसा. पयल्या पावसाच्या थेंब्यांन भिजिल्ल्या मातयेचो वास म्हजो प्राण जावन रावला. रातचें सोप्यार-बसून भायर पळेत जाल्यार सगळें रान किट्ट काळखांतय चान्यान भरिल्लें दिसतालें. अशे काजुले हांवें परते पळयले नात. काज, आंबो, जांभळ म्हज्या ममांत आजुनय चंवर धरता.

कुशावती न्हंयचे देगेर आमचें भाट. त्या भाटांत आमचें घर. सगळे माड मळबाक

तेंकपी. आमगेल्या आंगणाचे उजवे कुशीक मोठो वाडो कसो घर आशिल्लें. सगळ्या गांवांवेल्यो बायलो थंय पापड लाटूंक वेताल्यो. आज त्या घराचो एक भग्न अवशेष देखून उरूंक ना. ना म्हणपाक पेडावेलो रूमड आजूनय आसा. मार्गाकुशीक एक ओंवळ. सगळीं भुरगीं फांतोडेर ओंवळां पुंजायतालीं. आजय ती ओंवळ आसा. पाणट्यावेली जांभळ मात ना, तिचें कांड आसा. ह्यो म्हज्यो ल्हानपणांतल्यो यादी. आतां मुंबय राविल्ल्या लोकांक कोंकणी उलोवपाची लज दिसता. मायभास म्हळ्यार, मराठी सांगतात. 'कोंकणी गोव्याची भाषा आहे' म्हणटात. गोंय तांकां आतां परकी जालां. आमी गोंयकार अशें केन्ना म्हणनात. हें सगळें पळोवन आनी आयकून गोंयची वार न तुटिल्ल्या म्हज्या सारख्याक खूब दुख्ख जाता. आयज गोंयकारय बदलत चल्ला. तांणें आतां सुशेगपणा सोडून दिवपाक जाय. भायलो लोक गोंयांत खूब भल्ला. गोंयचे सगळे अर्थीक वेव्हार ते हातांत घेवंक लागल्यात. आमी केन्ना शादूर जातले? एकमेकावेलो विश्वास उडत चल्ला काय अशें दिसता. हो सुवार्थ गोंयच्च्या मनांत रूजला. हें बरें न्हय. पयलीं जातीन कोणय जांव, एकामेकाची अपुरबायेन वासपुस करताले. किरिस्तांव, हिंदू, मुसलमान, धर्मान कोणय जांव, एकामेकाची वासपुस करताले. सूखदुख वांटून घेताले. सगळ्यांचीं काळजां एक आशिल्लीं. आयज तें ना. मन विषण्ण जाता. लोक आतां शेतां रोयनांत. नुडल्स खातात. वडे तांकां पचनात. तांकां पिझ्झा आवडट. फाल्यांचें गोंय कशें आसतलें हाचो विदारक दिश्टावो मन हुलपावन वडयता. म्हजे कवितेंत हांवें हाची थोडी जाणविकाय करून दिवपाचो प्रयत्न केला. ल्हानपणांत आयकलेले रानांतले उले आयज आयकूंक येनात. गोरवां दिसनात. दोंगर बोडके जाल्यात. हाका गोंयचो विकास म्हणटात.

मुळांत हांव कवी बी कांय न्हय. कोंकणी भास म्हजी आवय. म्हजी मायभास. ती म्होवाळ आसा. दुदाळ आसा. पिकिल्ल्या पणसा गऱ्याचो, आंब्याचो सुवाद तिका आसा. काजूफेणयेची मादकताय तिका आसा. आमच्या गोंयासारखो सर्ग जगाचे फाटीर खंय आसा, अशें म्हाका दिसना. कविवर्य बा. भ. बोरकारांनी हो सर्ग आमकां दाखयला. खुबशा गोंयकार कवींनी गोंयच्या सौंदर्याची कवनां करून कोंकणी साहित्यांत मोलादीक भर घातल्या. म्हजो हो यत्न तुमकां कितलो भावतलो हें म्हाका खबर ना.

बाय जयंतीन एका फावटीं म्हाका म्हळें, 'आरे काका, तूं कित्याक बरयना. तुजी कोंकणी मायभाशेची तळमळ उतरांनी उक्ती कर.' हांव विचारांत पडलो. हांवें केन्नाच कांय कोंकणींत बरयलें ना. मराठी कविता थोड्योशयो केल्यात. फकत छंद म्हणून, पुणून कोंकणी भाशेंत कविता करप म्हाका जमतलें काय? कोंकणींतल्यान लेखन करप म्हाका शक्य जातलें काय?

दोंगोर उस्तून उंदीर काडूं येता. पूण वोडून ताणून कोण कवी जायना. कोंकणी उतरांचो संवसार आत्मगत आसलेबगर कोंकणी बरोवप कशें? हांवें जयंतीक म्हळें – 'जयंती, हें कशें जावंचें. तुका कोंकणी भाशेंत एक पत्र बरयलें कितें आनी तुवें इतलें मनार घेवन म्हाका कविता कर म्हण सांगलें कितें, हें कांय म्हजे तकलेंत बसना!' पूण कोंकणी भाशेंतली येदी व्हड लेखिका, जिच्या नांवार खुबशीं पुस्तकां बरयल्लीं आसांत तिच्या आग्रहाखातीर हांवें हो 'चायल्डीश' प्रयत्न केलो आनी तो 'मनसांज' रूपान तुमचे मुखार आसा. म्हजे कवितेंत तसो संदेश बी काय ना. आसात त्यो मनांतल्यो निखळ भवना आनी अणभवांतल्यान स्फुरिल्लीं उतरां! मुंबय राविल्ल्यान आनी मराठी भाशेचें वजें माथ्यार आसल्या कारणान म्हज्या बरपांत अदीं–मदीं मराठी उतरां येतात, पूण तातूंत कोंकणी भाशेचो अपमान करपाचो म्हजो बिलकूल विचार ना. कोंकणी भाशेचो बाज आनी तिचें सामर्थ्य म्हजे भाशेंत ना हें हांव जाणां. एक मात सांगतां, कोंकणी भाशेच्या मोगान हांवें हें बरयलां. छंद, मुक्तछंद आनी कितल्योशोच जातकुळ्यो न जाणतां हांवें बरयलां. कोंकणी वाचकांक त्यो कितल्यो भावतात हाची जाणीव म्हाका ना. कोंकणी साहित्य हांवें खूब वाचलां अशेंय ना. जयंतीबायन धाडिल्लीं पुस्तकां थोडीं वाचिल्लीं आसात. म्हजे भितरली अभिव्यक्तीची कीट जयंतीबायन फूंक मारून जागी केल्या. तिचो उजो कितले ताकदीचो म्हाका खबर ना.

म्हजी सगळी जीण मुंबयन काबार केली. हांवें कितें मेळयलें हेंय म्हाका खबर ना. अशें म्हणुंया की 'शरीर मुंबईला आनी प्राण गोंयाच्या भुमींत.' अशी म्हजी आयची आनी मुंबय पांय दवरल्या पसूनची अवस्था. हांव अस्वस्थ हेच खातीर. आयज म्हाका दिसता, गोंयचीं शेतां म्हजेलागीं उलयतात. आमची पाणट्यावेली मेर म्हाका पाणट्यार पावतासर सांगात करता. आंबो म्हणटा, 'यो रे, म्हज्या मुळांत बस. बरी सांवळी दितां. कितें वाचपाचें तें म्हजे कुशींत बसून वाच.' फांतोडेचो दंव आंगार पडल्याबरोबर आज्ञाताच्या अमृतान न्हाल्याचो भास जाता. भास कसलो अमृतच तें. आजुनय म्हाका दिसता सांजचें पाणट्यावेल्या तळपार बसून मळब पळोवंचें, रातचें चान्न्यान भरिल्लें मळब नियाळचें, न्हंयेंत उदेल्लें मळबाचें पडबिंब काळजांत साठोवचें.

परतें एकदां सांगतां, हांव साहित्यीक न्हय, न्ही कवी. 'गावड्याचें उतरांत'– र. वि. पंडित म्हणटात, 'कोंकणी कवी आपल्या मूळ पुरसाकड्यान स्फूर्त घेता. मुळाक उदक घालून नवी जीण पोसता.' तशें म्हजें जालां. कोंकणी भाशेचें मूळ म्हज्या मनांत आनी काळजांत रूजलां.

चंद्रकांत नायक

1. हांव पयस पयस

हांव पयस पयस
जल्मभुंयेची नाळ
केन्नाच तुटिल्ली
आतां फकत उकतीं
दारां उगडासाचीं
खीण खीण जागयता याद
आंब्यार फुटिल्ल्या
अस्तमेच्या रंगाच्री
न्हंयेचे देगेची ओड
आजुनय पिशी
माडांचुट्टांची सळसळ
झाडांपानांतली शिळवण
घालता साद काळजांतली
आजुनय दिसता पिशा मनाक
पावन थंय केन्नाय तरी

2. दिश्टावो

दिका दिकांनी...
घुस्मटलां,
एक वादळ
खदखदणारो आंगार घेवन
आकांत गडगडाट...
धुमसत रावला,
एक प्रलय
अस्वस्थ दिको...
आडावंच्यो नात
कोसळपी मळबाक
आनी...
उध्वस्त जीण,
पेलूंक शकची ना,
मळबाचो भार

3. अजाण

आयज खूब खूब वर्सां जालीं
जल्माचो अर्थ म्हाका कळोंक ना
जिणेचो अर्थ म्हाका कळोंक ना
कारण तेन्ना...
अर्थ समजुपाचें वय नाशिल्लें
आनी जेन्ना...
वयाक येवजण आयली
तेन्ना...
जिणेक अर्थ आसा,
हें कळोनय...
अजाण रावलों
आजुनय...
अजाणच आसा.

4. रूपडीं

हांव सोदतां...
म्हजो म्हाकाच
उसळिल्ले गर्देंत
तरे तरेचीं रूपडीं
भोंवतात भोंवतणी
हांव वाट पळेतां
रूपडीं केन्नाय तरी फुट्टलीं
आनी...
उकतीं हांची कर्तुबां जातलीं
अब्रु,सोदीत धांवतलीं
आपलींच रूपडीं माडयत.

5. कळी फुलताली

एक कळी फुलताली
ल्हान ल्हान सुर्याबिंदूले
आंगभर मिरयताली
फाल्यां सपन पळेताली.

अस्तमेची सुर्यालाली
मळबभर तांबडी जाली
अमुरपिकी आमोरी
कळयेन आंगार खेळयली.

ल्हवू ल्हवू रात सरली
फांतोडे किर्णां दवांत भिजलीं
कळी शिरंत्रांनी शिरशिरली
पाकळे पाकळेन लजवंती फूल जाली.

6. सपनांचीं पांखटां लावन

आयुश्य उडटा, दिको सोदता
दिकांची वळख नासतना
आनी...
जीण व्हांवत आसता
संवसाराचे न्हंयेक वेंग मारींत
उदकाचो रंग खबर नासतना.

7. सपनां

सपनां जागयतां जागयतां
जीण बावली पिरायेची
सपनांक पालव फुटलोच ना
आनी रात बावोन गेली.

सपनां, सपनांय रावलीं नात
जाग आयिल्ले जिणेक तीं
अस्तित्वाची जाण दिवन गेलीं
जिणेचें रीण उश्णें, हें कळोनय
पिशेपणान जागयल्लीं सपनां
जिणेकच भार जालीं.

८. मृगजळ

आयज...
मनशान शेंवटून मारलां मनीसपण
जळामळा.
विखार घेवन पातळ्ळ्या,
एक काळवाट,
मनीस कळवळटा
अणभवाचे वाटेर
संस्कृतायेच्या तोर्णाचीं फुलां
करपल्यांत...
आवय-भयणीच्या पदरा सकयल
मांडला बाजार अब्रुचो
मनशां भलायकेचो
तरीय...
मनीस धांवत आसता,
धांवत आसता
धांवतच रावतलो.

9. भाटकारालें शेत

दनपाराच्या कडार
माथ्यार खोंटलो, हातांत पोटलो
शेंवतें चल्लें शेतांत.
'आगो, आगो शेंवत्या
पंळय बाये दनपार जाल्या
पोटांत पडला उजो
वाट पळेता भ्रतार'.
भाटकारालें शेत
मुंडकारालो घाम
बैलांजोडये बैल कशी
जीण जाता लांब.
बैलांकय दावणें,
मुंडकाराकय दावणें
घरां भरता भाटकार
केन्ना सायबा दीस येतलो
शेंवतें जातलें सावकार.

10. जिर्तीं मर्डीं

तुमची आमची भूक
मायेची, अपुरबायेची
दुसऱ्याचें सूख
आपलें म्हणपाची
भूक लागलीच जाल्यार
दोन शितां पोटांत घेवन
जगपाची.

मनशांची अशीय एक जीण
तांची पोटां सदांच भरिल्लीं
शितांची भूक तांची न्ही
तांची भूक दुडवांची.

जिणकाय तांची तकतकता
आमचे जिणेक भार जावन,
बोंदरां जाल्यार देखून
आमची जीण फकत जियेता.

असल्या मनशांच्या
पयस राविल्लें बरें
कित्याक काय म्हळ्यार
जीण तांची जितें मडें
आमच्याय हड्ड्यार बसतलें.

11. आयुश्याचीं गितां शेणिल्लीं

आयुश्याचें गीत
येवजण नाशिल्लें
अंतरांत अज्ञान घेवन
जागें आशिल्लें.

गितांतले शब्द
खंयतरी शेणल्यांत
पुंजायत तेन्ना
एकठांय करून
अर्थ बांदीन
म्हाका कळोसारको.

शिमेर उब्यो आसात
आनीक जिणो
वाट पळयतात म्हजी
तांचे जिणेचो अर्थ
तांकाय खबर ना
कारण
तांच्याय आयुश्याचीं गितां
शेणिल्लीं आसात
म्हजेसारखीं.

12. नाच गो नाच

नाच गो नाच
नाच गो नाच.

पाचवी पाचवी शेतां
झोपाळ्याचीं ल्हारां
वाऱ्यावांगडा धालो
खेळटात गो, खेळटात गो.

रंगरंगयाळीं फुलां
लजवंती पानां
भिरमुट्यो कानां
गायतात गो, गायतात गो.

शेवर्णी चानयो मोगाच्यो
रानपिराय तरणाट्यो
शेंपट्यो फुलयत
नाचतात गो, नाचतात गो.

गोरवां गेलीं रानां
पालय-चरोव पानां
उले मारीत राखणे
भोंवतात गो, भोंवतात गो.

नाच गो नाच
नाच गो नाच.

13. खीण

एक एक खीण
खिणाफाटल्यान खीण
आकाराविना सरतात युगांचीं युगां.
युगाचो जल्म एक खीण
खिणाचो रंग वेगळो
वेगळें रूप
अपार मायेचो खीण
रगताचीय ओड
खिणाक उसळपी उदक मळबाक तेंकता
सगळें शेंवटीत भूंय कांप कांप कांपता
अक्राळ विक्राळ खीण
खिणांत एक खीण
जल्म आनी मरण एक खीण
जगाचो अंत खिणांत
खिणाक फाटीं सारतना
अंत ना खिणाक
एक खिण इल्लोसो, महाकाय आकांत पियेल्लो !

14. कुड्डो

मलप्यांतलो उजवाड
काळखान धांपला
उजवाडाच्यो कडो
भिजल्यात
केन्नाच पळयल्लीं नाशिल्ल्या
सपनांच्या दुकांनी
कारण सपनां पळोवंकय
उजवाडाची ल्हानशी
एक तिरीप लागता.
तरीय तो जगता, एक जीव
जगांतलो सगळो काळोख
एकठांय करून
इल्ल्याशा दोन दोळ्यांत
झरमरत रावता उजवाड
मलप्यांभितर.

15. दुसऱ्या अस्तित्वाचो सोद

आयज म्हाका कांयच याद ना
उगडासांचीं उक्तीं दारां
हांवें केन्नाच बंद केल्यात
म्हाका भायर दवरून.

कितले फावटी येवजिलें
भितर वच्चें पूण
चार वण्टीभितर आशिल्लें अस्तित्व
म्हजें न्ही.

हांव पळयतां
बंद अस्तित्वाची घालमेल
हांवेंच केल्ली पूण
भायर मेकळो आसा हांव
विचारांक दिको फुटल्यात
स्वतंत्रतायेच्यो.

म्हजी बंद दारांभितल्ली किळांच
म्हाका आयकूंक येता पूण
ती फकत किळांचच आसा
अर्थ नाशिल्ली.

हांव आतां वचूंक लागला
पयस पयस तरंगत
विचारांच्या दिकांर सुवार जावन
म्हज्या दुसऱ्या अस्तित्वाच्या सोदांत.

16. पावसाच्यो सरी

लख लख करी, पावसाच्यो सरी
मळबांतल्या कुपांक भांगर किनारी
भांगर किनारी तिका रंगाचो भार
आकाशाच्या मांडार खेळटात परी.

लख लख करी पावसाच्यो सरी
मृदंगाच्या तालार थंय थंय करी
मृदंगाचो ताल मोराचो नाच
दोंगरावयल्यान देंवतात दुदाच्यो धारी

लख लख करी पावसाच्यो सरी
वारो जालो भोंवर, शिळवण घाली
पानांतली शिळवण, झाडां जालीं चिंब
झाडांवयल्या घोटेरांत शेवर्णी गपचीप.

लख लख करी पावसाच्यो सरी
शेतां-कुळागरांतल्यो नक्षत्रांच्यो राशी
नक्षत्रांच्यो राशी धरती सज़ली
नवी नवी व्हंकल शिरंतरांनी लजली.

17. कांटो

काळजांत तोंपता एक कांटो
सदांच...
खंत कोणा सांगची
रूख पडला हुमटून
सांवळे मायेचो.
दुकां सुकतात...
कांटो तोंपतच रावता
एक वेळ आशिल्ली
विर्जण पडिल्ल्या मनाचेर,
रंग उडिल्ले जिणेचेर
शिंवर आशिल्लो
मोगा फुलांचो
वाट परमळटाली जिविताची.
आतां...
करपोन गेल्या ़वाट
उडोन गेला परमळ
खंतीचो कांटो मात
तोपतच आसा
तोपतच आसा.

18. चाफें

म्हजें म्हाकाच कळनाशें जालां
कळे फुलोन फुलां केन्ना जातात
निळ्या तांबड्या फुलांचेर
भोंवर घुंवनाळ्यो काडटात.

आंगणात आसा एक चांफो
म्हाका पळोवन फुलोन फुलोन हांसता
चाफ्यांचो वास....
शिरंत्रानी शिरशिरता.

चांफो कित्याक हांसता,
म्हजें म्हाकाच कळोन आयलें एक दीस
हांवय आतां फुलोंक लागलां
म्हजें हांवच एक चाफें जालां.

19. अणभव

नकळटां मनशाक
एक जाण येता भाराविल्ली
आनी सुलूस लागता,
बऱ्यावायटाचें भान नाशिल्ली.
तरणाटी पिराय...
कसलेंच बंदन नाशिल्ली,
वेंग मारूंक धांवता
एका दिश्टाव्याक...
आनी पुंजावंक लागता
एक एक गोटो अणभवाचो
केन्ना मातयेंत, केन्ना कांट्यांत.
नियती ताका नियाळीत आसता
एका देगेवेल्यान संवसाराच्या,
जेन्ना...
मनीस चडत आसता
एक एक सोंपण अस्तमेचें.

20. आयुश्य रूख

आयुश्याच्या रूखामाथ्यार
सदांच हुलपयणारें वत
शितळसाणेची सांवळीच ना
सांवळी दिणारी पानां
खंय आसात?

तानेल्ले कुडीक जाय
एक शिंवर, कोमऱ्यो फुलयणारो
जतनायेच्या मुळांचो आदार
मुळां खोलायेंत गेलींच नात.

चंवर केन्ना येतलो,
आयज, फाल्यां करीत करीत
रूख पावसांत भिजतच रावलो
पानांशिवाय वतांत तळपतच रावलो
निस्तेज, निश्पर्ण.

21. आयज बुदवंत किल्लल्यात वाठारा वाठारांनी

आयज बुदवंत किल्लल्यात वाठारा वाठारांनी
कोणाकय कळनाशिल्लें ज्ञान दिवंक
पावलां कणकणी
पूण, दीन दीन दुबळ्यांखातीर
कोणय दिता काय शिताकणी.

दोळ्यांर कात ओडिल्ले बुदवंत
आसात उबे स्वतंत्रतायेच्या हड्ड्यार
स्वतंत्रतायेच्या ज्योतींनी पेट्टात कुडी
त्याच कुडींचो मांडला बाजार बंदखणींनी
पूण, दीन दीन दुबळ्यांखातीर
कोणय दिता काय शिताकणी.

आयज सगळो संवसार पाड पडला
काळ्या कर्तुबांच्या व्हांवत्या व्हाळांनी
जाल्यात राजकर्ते कुड्डे
परक्यांचे भाकरेच्या कुडक्यांनी
पूण, दीन दीन दुबळ्यांखातीर
कोणय दिता काय शिताकणी.

राष्ट्रदेवतेची विटंबना आनी
राष्ट्रियतेचीच होळी केल्या,
बुध्द घाण दवरिल्ल्या बुदवंतांनी
पूण, दीन दीन दुबळ्यांखातीर
कोणय दिता काय शिताकणी.

22. दर्यावेली सांज

आकुळपिकुळ सांज कशी ल्हवू ल्हवू येता
पिशी पिशी सांज कशी दर्यार पातळटा
मळबाच्या मळार कशी सोबीत दिसता
तांबड्या तांबड्या गुलालाचो शिंवर शिंपिता.

आकुळपिकुळ सांज कशी ल्हवू ल्हवू येता
अस्तमेच्या सुर्यान पळय शृंगार केला
देगपिशी ल्हारांक कशी ओड लागल्या
अळंग अळंग ल्हारां आतां रेंवे रेखितात.

आकुळपिकुळ सांज कशी ल्हवू ल्हवू येता
रंगयाळी व्हडीं कशीं ल्हारांर धोलतात
व्हड्यांवेले तारयेय आतां घरांपिशे जाल्यात
घराकडेन घरकान्न तांची वाट पळयता.

23. नियतीची सांवळी

पावलां कणकणी
नियतीचो खेळ मनशाविशीं
नाचयता संवसाराच्या मांडावेल्यान
मनशा गोमटेक दावें बांदून
अणभवाच्यो, गिन्यानाच्यो दिको
मनशाच्या सुवादीन आसून लेगीत
पयस पयस पयसावेल्यो.
जिणेविशींची बुनियाद मनशाची
आयज खंय आसा, ताकाच खबर ना
विकृतीचें विख पिवन
विखारी जाला मनीस
तरणाट्या पिरायेची जाण
व्हांवता घावो जावन
निष्क्रीयतेच्या व्हाळांत
नियती नियाळटा ताका
ताची सांवळी जावन.

24. हांव येतां सदांच तुजे ओडीन

हांव येतां सदांच म्हजे मांय तुजे ओडीन
भारावील्ल्या मनान
खळखळत धांवत आसता तूं
दर्याचे ओडीन दर्याकडे.

आयज इल्ल्याशा रोपुल्याचो
रूख जाला हांव पयस पसरिल्लो
आनी कितलो पसरचो
खबर नाशिल्लो
तूं मात व्हांवतच आसा
काळ्याशार तळपाक वेगेंत घेवन
मळबाचो हारसो जावन दर्याकडे.

हांव सदांच येता म्हजे मांय
सैमाक नियाळीत
चंवरिल्ल्या सैमाचें रूप
तुज्या आसमानी हारशांत पळयत
घडये, सैम म्हणटा जायत
कोण हो पिसो? पिसो हांव खरोच
तुज्या उदकाच्या एका घोटान
तृप्त जाल्लो.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
333

25. तरणाटी पिराय

तरणाटी पिराय पिशी पिशी
पिश्या मोगान चंवरणारी
आयुश्याच्या देंठाक कांटे
आनी कांट्यारच फुलणारी.

तरणाटी पिराय पिशी पिशी
बंदमुक्त पांखांची,
चंचल फिरक्या ल्हारांची,
रंगयाळ्या पांखांनी भोंवड्यो काडणारी.

तरणाटी पिराय पिशी पिशी
तवनास आंगार सैम मिरयणारी
प्रीतकणांच्या गुपिताचें गीत गायत
सुरांच्या ल्हारांनी संगीत फुलयणारी.

26. मनशाचें रूप

रंगरंगी सैम, विश्वाचें रूप
मनशाचें रूप, अशाश्वत मार्गावयलें
शाश्वताचो थांग नाशिल्लें.
मनशाच्या रंगरूपाचें आकलन
मनशाकच जालें ना
पूण सैम आपल्या मार्गान
चलतच आसा
केन्ना वसंतांत फुलता
केन्ना गीष्मांत रौद्ररूपी जाता
मनीसय आपल्या मार्गावेल्यान
चलतच आसा कुड्डो जावन
सैमाचें रूप कळनासतना
आपल्याच कर्तुबाचे करणेन
जळत रावता, सैमाक साक्षी दवरून.

27. मार्गस्थ प्रवासी

अनंताच्या मार्गार
मार्गस्थ प्रवासी
ताच्यो पावलांखुणो
उदेल्यात
अवकाशाचे वाटेर.

म्हज्याय अस्तित्वाची जाण
असीम मार्गावयली
निराकार पोकळेंतली
बंदन नाशिल्ल्या
खिणांनी बांदिल्ली.

अनंतकाळाची मर्यादा
अपारकालाचे गर्तेंत शेणल्या,
ते वाटेर,
कोण महापुरूश, कोण बुध्द
तातूंत हांव एक शेणिल्लो,
म्हजेय जिणेची सूद
एक देग हुंपूक मेळनाशिल्ली.

28. मनीस जगता

मनीस जगता
फाल्याचीं सपनां
आयज पळयत
उदेंत्या सुर्याक
दंडवत घालीत.

दनपारची भूक
फाटीर मारून
वणवण भोंवता
पोटांत फोंड
टळटळीत सुर्याक
माथ्यार घेयत.

घामाच्या धारांक
कोमऱ्यो फुटतात
यंत्रांच्या पांयांनी
चलतां चलतां
आयुश्याची तिळसांज जाता
गुप्प काळोख वेगेंत घेवन
जळटा सरणार.

मनीस जगता
मड्यार फुलां घालून
दुकां गळयता
फाल्याचीं सपनां
आयज पळयत.

29. म्हाका सदांच दिसता

मोगा, मोगा
म्हाका सदांच दिसता
तुवें येवचें, चंवरांतल्यान फुलचें
फुलतां फुलतां हांवें पिशें जावचें.
दंवाच्या थेंब्यांनी रानचिंब जावचें
भिजिल्ल्या रानांतल्यान भोंवत रानगंध चाखचें
म्हाका सदांच दिसता
तुवें येवचें,
ल्हारांच्या तरंगांनी पेंवचें
पाचवे निळे पांखे जावन
उडटां उडटां सोनवतांत न्हावचें
वसंताक घेवन आयुश्यगीत गावचें.

30. अमृताचे थेंबे

गोंयच्या मळार फुलल्यांत
कोंकणी भाशेचीं शब्दफुलां
नाजूक नाजूक हलकीं फुलकीं
जशीं आबोलीं रंगफुलां.
ह्या शब्दफुलांचो रंगसुगंध काय आगळोच
नादस्वर कितले म्होवाळ
आस्वादाचे ओडीन गितां फुलतात
घराघरांत शब्दरूपांचो साज
घराघरांत शब्दांचो ताल
शब्दरूप जाल्या, भाशेची किनार
अमृताचो एक एक थेंबो ही गोंयची भास.

31. हांव एक अनामीक

हांव एक अनामीक
चलूंक लागला,
संवसाराच्या हुमऱ्यावेल्यान
एका अनामिकाचे वाटेर,
पूण...
तो अनामीक
केदो व्हडलो दोंगोर कसो
मदींच उबो
आपली काळीकुट्ट सांवळी घेवन
आनी...
हांव लागीं पावलो तसो,
तो अनामीक,
लागलो चलूंक फुडें फुडें
पळेतां पळेतां
त्या दोंगरा येद्या अनामिकाचो
जालो एक ठिपको
पयस पयस गेल्लो
हांव थंयच रावलों उबो,
आनी...
हांवच जालों एक दोंगोर
मळबायेदो
मदींच उबो
म्हजीय काळीकुट्ट सांवळी!

1652

32. पोरणें घर

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★ Mangaluru

वांशे करकरतात, माळयेर जळमटां
घराच्या सोप्यार बशिल्ल्या आज्याचें मन
सोंपिल्ल्या दिसांच्या यादींच्या जळमटांत घुस्पलां.
        पोरणें घर आज्यान बांदिल्लें
        पोरण्या घराच्या वांश्याभशेन
        आज्याचींय हाडां आतां खिळखिळीं जाल्यांत.
वण्टीवयल्या खुंटयेचे जुनेर धोतर
धोतराच्या सांगाताक खमसाचें बोतर
कुशीचे सत्रेचो काळो रंग विटला.
        सत्री पिंजल्या नळे फुटल्यात
        पिजिल्ल्या सत्रेंतल्यान आनी फुटिल्ल्या नळ्यांतल्यान
        मळबाचो रंग दिसता.
पूण पोरणे घर आज्याच्यान सोडये नजो
पुतान बांदिल्ल्या नव्या घरांत जावये नजो
नव्या घराच्या दिव्याच्याकय आज्याक रातीचो लाटन बरो.
        पोरण्या घरान पळयला पुताचो जल्म, बारशाचीं तोरणां
        लग्नाच्याय हळदीचो रंग आजून विटिल्लो ना
        पुताच्या आवयची याद पोरणें घर विसरोंक ना.
नातवान आज्याक नव्या घरांत आपयलो
आज्यान नातवाक तापयलो,
सांगलें, 'तुज्या बापायक सांग,
'घराचे वांशे काड आनी बांद म्हजें मडें!'

33. योरे योरे मोगा

योरे योरे मोगा म्हज्या पुनवेचे राती
मोगा म्हाका वेगेंत घे रे दुधाळ चांदराती,
पुनवेची रात फुलल्या चंदेरी चान्न्यानी
मोग म्हजो फुलूंक लागला चंवरांच्या गंधांनी.

योरे योरे मोगा म्हज्या पुनवेचे राती
मोगा म्हाका वेगेंत घे रे दुधाळ चांदराती,
चंद्रीम न्हाऊं घाली शांत शांत किर्णांनी
मोगान म्हज्या पिशे जाल्यां हांसता रातराणी.

योरे योरे मोगा म्हज्या पुनवेचे राती
मोगा म्हाका वेगेंत घे रे दुधाळ चांदराती
पावलां पावलांर वाट फुलल्या नाजूक वोंवळांनी
मन म्हजें नाचूंक लागलां धुंदीच्या ल्हारांनी.

योरे योरे मोगा म्हज्या पुनवेचे राती
मोगा म्हाका वेगेंत घे रे दुधाळ चांदराती
शिणोवं नाका आतां म्हाका दोळे तुजे लागीं
शिणलेल्या दोळ्यांत म्हज्या तुजीच आस जागी.

34. अर्जुना, आतांच तूं बाण मार

अर्जुना,

तुज्या मनांतली खळबळ म्हाका खबर आसा
कुडींत तुज्या त्राण ना, तूं विकलांग जाला
पूण आतांच तूं बाण मार
रथचक्र भुंयेत रोमून बसलां.

अर्जुना,

म्हाका खबर आसा तूं कित्याक घायाळ जाला
कर्ण तुजो भाव, तूं विषण्ण जाला
पूण आतांच तूं बाण मार
कवचकुंडलां दान केल्लो कर्ण अगतीक जाला.

अर्जुना,

तुका कशें सांगूं, म्हज्या काळजांत कितें जाता
सुर्याचो पूत तो, आनी सुर्या तर हांवच आसा
पूण आतांच तूं बाण मार
सुर्याचे तेज झांकाळून काळोख जाला.

अर्जुना,

तुका दिसता तो ऋषितुल्य भिष्म न्ही
ना थंय द्रोणाचार्य, ना कोणाचें अस्तित्व
म्हूण आतांच तूं बाण मार
ते आसात कौरवांच्या रूपान साक्षात रैरव.

अर्जुना,

तूं आतां धीर कर आनी धनुश्य उबार
संवसाराचें वस्त्रहरण, कर्णाचो कौरव जाला
म्हूण आतांच तूं बाण मार
तो बाण, बाण न्ही तर कर्णाचो मोक्ष आसा.

35. सैम

धर्तरीमायेच्या गर्भागारांत निर्माण एका बिजाचें
धर्तरीमायेच्या गर्भांत निर्माण फाल्यांच्या सैमाचें.

सैमाचें रूप आवर्तन, परिवर्तन, धर्तरी गर्भार,
शैशवाच्या भारान धर्तरेक उभार.

कोमरी फुटोन सैमाचें इल्लेशें रूप जेन्ना भायर ये़ता,
सप्तरंगांच्यो फांतियो माळून धर्तरीमाय सजता.

मोरपिसो सैम चंवरांनी फुलता, रेशमवत घेवन धर्तरेर देंवता,
कोमरी फुटलेल्या सैमाचें रूप सैमच जाता.

36. गोंयकारा, तूं जागो जा!

गोंयकारा,
तूं आतां जागो जा!
दोळ्यांवयली झांपड काड, उबो राव
तुका कितें दिश्टी पडटा?
चारीय वाटेन सांवट आयलां.
गोंयकारा,
लोक तुका सुशेगाद म्हणटात
चड सुशेगाद जावूं नाका
लोक तशें म्हणटात म्हूण
फुलोन तूं वचूं नाका.
गोंयकारा,
गोंयची माती, गोंय आमची माय
भांगराभाशेन शेतां आमची पिकोंक जाय
हें सांवट आतांच तूं थांबय
घरदार गोरवां तुर्जी आतांच तूं वांचय.
गोंयकारा,
कित्याक म्हूण तूं न्हिदून रावला
गोंयचें गोंयपण विकूंक आयलां,
हें सांवट सांवट न्ही
गोंयचेर आयिल्लो हुंवार आसा.
गोंयकारा,
गोंयपण तुजें रावचें ना
वेळ गेल्यार तूं कांय करूंक शकचो ना
आतांच हें सांवट तूं थांबय
ना जाल्यार बडयेचोय आदार तुका मेळचो ना.

37. प्रश्नाची जाप

हांवें म्हाकाच एक दीस विचारलें,
तूं कोण, खंयसान आयला?
    खबर ना, हांव कोण, खंयसान आयला,
    हेंवूंय खबर ना, कित्याक आयला, खंय वयतलों !
हें जग, संवसार कितें आसा?
हांव विचार करतां, जाप 'शुन्य' आसा.
    पूण शुन्य अनंत अपार आसा
    सगळें जग संवसार व्यापून उरलां.
शुन्य आसा म्हुणोन जग आसा
जग, संवसार, तूं, हांव सगळें शुन्यच आसा !

38. उद्ध्वस्त जालीं घरांदारां

मळब पांगरून धर्तरी न्हिदल्या
काळोख पांगरून न्हिदल्यांत वाठारां
न्हिदल्यात थकिल्ले भागिल्ले श्रांत जीव
फाल्याचीं उदेंती सपनां उशाक घेवन
तृप्त जाल्या भूंय घामाच्या धारांनी.
पूण काळ जागो आसा
नियतीच्या मनांत कांय वेगळेंच आसा
काळाक भूक लागल्या रगतमासांची
एक एक पावल काळोख माड्डीत
मुखार घालता चित्याचे चपळायेन.
काळान झडप घाली
चित्कार लेगीत उठोवंक ना
काळीज फुटिल्लीं घरांदारां
काळान गिळ्ळीं, उद्ध्वस्त जालीं
रगतान न्हाल्ली फांतोड जागी जाली.
रगतान मांखिल्या फातराचेर
बोंदर बसलां एके जाण्टे जिणेचे
पयस बसल्यांत गिधां
वाट पळयत, आनीक एका मरणाची.

833

39. देग

भुंयेचेर उबो रावन मनीस
हात तेकोवंक पळयता मळबाक
पिसो मनीस
भूंयेकच जाला भार सुवार्थी जिणेचो
मसण जाल्या भुंयेची, मनशाच्या कर्तुबांनी
पिसो मनीस
धांवतच आसा
सत्याची झोळी फाटीर मारून
असत्याचे वाटेर
पयस पयस पाविल्ले भुंयेर
मळब तेंकिल्ले देगेर
पिसो मनीस
धांवतच रावतलो
देग नाशिल्ल्या जाग्यार दांग मारूंक.

40. इल्लीशी वाट

मोडणां घेत घेत
पयस वयता एक इल्लीशी वाट
पांचव्या पांचव्या तणाच्या
पात्यांत लिपल्या मेरेची किनार.
वाटेचे कुशीचीं रस्मी फुलां
न्हाल्यांत हिंवटाच्या थेंब्यांत
परमळ घेवन वारो घुंवता
पिशी वाट भुल्लूसून वयता.
हळडुळीं हळडुळीं फुलपाखरां
भिर भिर भिरमुटी वाऱ्यार भोंवता
ओंवळ-चान्याचो शिंतोड
आंगार घेवन वाट मुखार वयता.

41. भिरांत

म्हज्या मनांत लिपून रावल्या
एक अनामीक भिरांत
काजळवात जावन ते धगींत
जळूंक लागल्या मनांतली सोंस.

म्हाका केन्ना केन्ना वोगीच दिसता
मनांतली भिरांत भायर येत आनी
ओडून व्हरत एका आवर्तांत.

आवर्ताचे गर्तेंत अस्तित्व म्हजें एक विवर जाता
अंत नाशिल्लो काळोख
उजवाडाची तिरीप देखून भायरच रावता
मनांतली काजळवात मन जळत रावता.

42. वावझड

एक पिसांट वावझड
जिणेची पालय शेंवटून मारीत
चंवर सारखो झडयत रावली
जिणेचे बाटेर घुंवत रावली
आतां तिका थांबूकच येना...
ती पिसांट वावझड.

43. किर्ण

आतांच हांगा काळोख आशिल्लो
तूं केन्ना आयलें कळ्ळेंच ना,
मनाचे तेंगशेर बसलें आनी
चंवरगंध केन्ना परमळ्ळो समजलेंच ना.

44. काजुलो

उगडासांचो...
एक याद काजुलो
लिक लिकता काळो निळो
सांजेच्या पानांपानार
दामून दवरिल्लो उमाळो
लागला आतां फुटोंक
काळखाक लागीं करीत
व्याकूळ मोने रितें मन
कळवळटा
अशें दिसता...
अशा ह्या आमोरेवेळार
वोगीच एकठांय केल्ले
उगडासांचे खीण...
वच्चे विरून
आनी, तरीय...
अचकीत येवंचो
एक याद काजुलो
चमचम करीत
लिकलिकत रावचो...
पानांपानांतल्यान,
उगडासांच्या !

45. सोपूत

म्हजी नदर
सारखी तुजे वाटेर
वाट म्हणूटा म्हाका पिशें!
कितें करूं?
वाटय आतां बेजार
म्हजी हुलपावण पळोवन.
तुका याद आसूंये...
घातिल्ल्या सोपुतांची,
म्होवाळ वत आंगार घेयत
मळबाच्चे निळायेंत,
केन्ना चान्यात भिजत
केन्ना पुनवेचो चंद्र पळयत
रंगयल्ल्या सपनांची,
फाल्यांच्या संवसाराची!
तुजी वाट बेगीन सोपून
तूं आयलो जाल्यार
मळबपसून सकयल हाडीन
तुजो म्हजो संवसार
सुखाच्या फुलांनी सजयन
आंगणांत पार्दीक लावन
वाटेक शिंरगारीन.

46. उज्याकीट

उज्याकीट इल्लीशी
पालंव नाका
धगधगीत होमकूंड जावंदी
अहंकारा कुडीं जळों दी
मनीसपणाची जाणविकाय
खुंटयेर मारून...
मनीस जगता आयज,
मनशानच घातिल्ल्या सरणार !
म्हणोन सांगतां...
राव मातसो
उज्याकीट पालंव नाका.
मनीसपणाक पालय फुटों दी
सरणाक थंडसाण येवं दी
ते शितळसाणेंतच
उज्याकीट इल्लीशी
पालवतली आपसूकच !

47. सांवळेक घर ना !

करपोन वचणारो
रूख पळयत
सांवळी बाबडी
पयसच रावली
केन्नाय तरी
त्या रूखासकयल
घर करपाक
मेळटलें म्हूण.

48. जिणेचीं मुळां

काळखाचे खोलायेंत
पयसावलेले जिणेचे हात
उजवाडाचो सोद घेयत
मळबा दिकेन पावयतां पावयतां
मुळांचो सोद घेयत
भुयेंतच रोमून रावले.

49. म्हज्या घरामुखावेली वाट

म्हज्या घरामुखावेली वाट
खंय वता खबर ना
मनांत मात घर करून रावल्या.
वोंवळीचो यौवन भार
म्हज्या काळजांत चंवरला,
लखलखींत उजवाडांतलें म्हजें घर
सुस्त देगेर विसावलां.

50. जिविताचें व्हडें

पलतडी केन्ना पावत खबर ना
शिडांक आतां वारें भल्लां
तरी...
व्हड्याच्या मार्गाक दिकाच ना
कोणेंय म्हाका विचारलें जर,
'तूं केन्ना बसला व्हड्यांत?'
तर... हांव सांगतां –
'उजवाड जेन्ना पळेलो दोळ्यांत !'
हांवें चुडटी पेटयल्ली
दर्यांतली दिका सोदपाखातीर
पूण...
उजवाडान दाखयली,
उजवाडांतलीच
काळीकुट्ट सांवळी जिविताची !

51. हांव पिसो

चाळोवं नाकात म्हाका
हांव पिसो म्हूण
म्हजें पिशेंपण, एक हारसो....
मनीसकायेची भलायकी जपणारो
दुकां सैमाच्या दोळ्यांत देंवतात...
तेन्ना
आंतरीक मनाचे ओडीक
स्पर्श करणारो...

व्हांवत आसता एक न्हंय
देवळांतल्या देवपणाची
चरणोदक जावन, पूण
खबर ना, तुमची जीण
सार्थकी लागता कांय ना
देव तुमच्या दारांत आसूनय.

देवळाच्या सोंपणाची आस
हावें केन्नाच बाळगिली ना, पूण -
ओड म्हाका देवळाच्या कळसाची
सैमाचें दान सैमाकच ओंपयणारी.

52. गरीबी

निर्शेल्या मनाचीं दारां
भूक पोटांत दवरून जगणारी
करमेल्लीं घरां,
थंड पडिल्ले चुलीर
भूकच जळयणारी जीण.
ती जगवपाची आस कितली?

उगडी अब्रू कितली धांपप
हाची जाण, आंगावयल्या बोंदरांनी
केन्नाच शेंवटिल्या, आनी
भुरग्यांच्या दोळ्यांत देंवल्ली भूक
व्याकूळ, पळेता सुकिल्लीं दुदां
आवयच्या हड्यार.

उक्त्या मळबासकयल सांवळीच ना
हात पसरिल्ले जिणेंत
मळबादिकेन नदर लावन
वाट पळेतात, दोन थेब्यांची
सुकिल्ली जीण थोडीय तरी
ओली करपाची.

53. गोंय म्हजें

गोंय म्हजें अळंकारांचें लेणें
गोंय म्हजें सैमाचें देणे
सातासमुद्राचे देगेक
गोंयचे मातये पिशें.
    गोंयची धर्तरी, शालू पांचवो
    जुवारी मांडवी, शालू किनारीचो
    अमृताच्यो धारो दुदसागराच्यो
    दर्या गर्जेता चान्या ल्हारांनी
गोंय म्हजें अळंकारांचें लेणें
गोंयचो सैम चंवरता फुलांफळांनी
शिंतोड वोंवळा चाफ्यांचो
हिरेमाणकां कुळागारांनी.
    गोंयची भूंय म्हजी सुगंधी
    भांगरा मोतियांच्यो खणी
    गोंय नाचता कातारां धालांनी
    गोंय धोलता माडा माडयांनी
गोंय म्हजें अळंकारांचें लेणें
गोंयची तिर्थां इगर्जी – देवळां
तुळशी वृंदावनां, भावार्थी आंगणां
गोंय म्हजें भक्तीपरायणा.

54. भांगर चाफो

हांव सदांच पळेतालो
भांगरचाफो,
तरणाटो सुर्या
ताचेर फिदा आशिल्लो
जुवान भार चंवर
म्हज्या काळजार झडटालो!

55. पोशांतलो थेंबो

वेंग मारूंक वेता?
हात कितलो पावयतलो,
राव मातसो!
पोसो उक्तो करूं नाका
थेंबो झडटलो!
पूण...
थेंबो झडल्यार झडोंदी
पोसो उक्तो जालोय जरी
भुंयेक हात फुट्टटले
तूं कित्याक वेंग मारता?
भुंयेर नखेत्रां झडटलीं !

56. गुन्यांव

आगो पिशा, हांवें तुजेर मोग केला
जालो कितें गुन्यांव?
गुलाबाची लाली तशी गालावेली खळी तुजी
घेता म्हज्या काळजाचो थाव.

भुरू भुरू केंस तुजे उडटात पळे कशे,
हुबून हुबून जाले मगो वाऱ्याफाटीं पिशे.
धटिंग कसो वारो पळे पदर उडयता
हांव जालों घायाळ, तो म्हाका तापयता.

सुर्या कसो तांबडो तिळो कपल सोबयता
दर्याची खोलाय तशी मळबाची निळाय तुज्या दोळ्यांत,
पळोवन शिंरतरांनी पेट्टा म्हज्या उजो
खिणा खिणाक मन जाता पिशें जोगूल.

पायजणांची पावलां तुजीं वाजयत तूं येता
आगो पिशा मनांत म्हज्या मोर नाचयता,
हावें तुजे मोग केलो हो जर गुन्यांव
मागीर घेता कित्याक परतो परतो काळजाचो थाव !

57. रे मनशा

रे मनशा...
दोळे आसूनय कुड्डो कसो?
पोसो तुजो बंद कसो?

रे मनशा...
हें देवालें दान गा
दवर हाचें भान गा
नाल्लांत जशें उदक तशें
काळजांत तुज्या मन गा!

रे मनशा...
मळब केन्ना जिखलां तुवें
नखेत्र केन्ना मोखलां तुवें
दर्यामाथ्यार मळब तशें
काळीज तुजें व्हड गा?

रे मनशा...
धतरीचो श्वास
तुजो मरे प्राण
जिणे मुळां रूजल्यां देखून
तुज्या जिवा सूख ना!

रे मनशा...

58. वास्तवाचो भार

आयज वास्तव जालां सैरभैर
वास्तवाकच भान ना वास्तवाचें,
वास्तवाचें अस्तित्व
चेंपून गेलां माथ्यावेल्या भारान.

माथ्यावेलें वजें,
घाण दवरिल्ल्या दुकांचें
पिळिल्ल्या जिणेच्या चोथ्यांचें
फातोर जाल्ल्या काळजांचें.

माथ्यावेलें वजें,
कपलां फुटिल्ल्या व्हांवत्या रगताचें
रेवटांत किलल्ल्या गिरेस्तकायेचें
सुखशांतीचो अस्त जाल्ल्या सुर्याचें.

वास्तवाक सोडपाचें आसा वजें
काळाच्या व्हांवत्या व्हाळांत,
पूण काळाक खबर आसा
वास्तवाक पेलूंक जाय सासणाचो वज्याचो भार.

59. सांकव

काळखाचे शिमेर
सुर्याचो बांद
उजवाडाचो सांकव
म्हजो भार पेलून आसा
पूण...
सांकवा सकयल्यान
व्हांवता काळोख
मळब घेवन
आनी..
त्या व्हाळांत
कितलींशींच नखेत्रां
व्हांवतात...
म्हज्या मनांतलीं.

60. सपनफूल

पावसांत रात भिजता,
ओले चिंब रातींत
मनाच्या कोनशांत
एक काजुलो चमचम करता.

ओले चिंब रातींत
एक सपनफूल फुलता
चिंब भिजल्या काळखांत
परमळ पातळटा.

आतां रात सरतली,
किरमिजी फांतोडेर, पांयवाट न्हातली
शुचिर्भूत जाल्ले पांयवाटेर
सपनफुलांचीं पांयजणां वाजतलीं.

61. मातयेंत आमच्या ना कितें

मातयेंत आमच्या ना कितें
तें तुमी सांगात
अणुरेणू उलयता मरे
गोंयच्या मातये प्राणांत.

खुरीस आमचो पेलता भार
दोंगर माथें आमची सासाय
दुदाळ आमचो दुदसागर
म्हाळसा मंगेशी आमची माय.

पोसो आमचो सदांच उक्तो
येयात धाय दिकांनी
कुळांगरां भल्ल्यांत मरे
मळबाक तेंकल्यात माड.

पणसा-काजयेक जाला,
यौवन भार,
शेकान शेक फुलयता मरे,
मोगाळ आमचो संवसार.

घेतल्यात आमी पेट्ट्यो चुडी
लासूंक सगळी जात-कात
गोंय आमची एकच जात
भाव आमी लाख लाख.

कुडयेंत आसत तोंवर प्राण
धोणवार आमी लायला बाण
अणूरेणू उलयता मरे
गोंयचे मातये प्राण.

62. दर्शन

कितले दीस तुका सोदतां
तूं आसा हें खबर आशिल्लें
पूण पळेलो केन्नाच नाशिल्लो
आनी...
एक दीस तणा पातें पळेलें
तुका दिस्त वळखलों
हांव हे वटेन, ते वटेन कित्याक हेडटां?
तणापात्या...
तुकाच पायां पडटां !

63. घुस्मट

मनाची घुस्मट
दोळ्यांत देंवता
जीण कडटा
आनी...
व्यथेचो बिंदुलो
संवसाराच्या मळार
व्हांवत वेता
आनी उरता...
फोंडकूल
काळजांत रिकामें...
रिकामें...

64. उतराच्या सोदांत...

एके फावटी...
प्रश्नाकच प्रस्न पडलो
स्वताच्या अस्तित्वाचो
आनी...
लागलो भोवूंक उतराच्या सोदांत.
हांवें ताका म्हळें...
तुका उतर मेळ्ळेंच जाल्यार
तूं भोंवपाचो रावतलो,
काय दुसऱ्या उतराच्या सोदांत
परतो परतो भोंवतलो?
आरे, तुका कशें कळना
उतरच तुजें अस्तित्व आसा
आनी...
तुज्या एका एका अस्तित्वांत
कितलींशींच उतरां लिपिल्लीं आसात
जीं तुका मेळ्ळ्यार,
तूं - तूं उरचोना,
तुजें अस्तित्वच ना जातलें.

65. वसंत

एक दिसा
मनातलें शेंवणें
अचकीत उडोन गेलें.
भायर...
वसंताचें वत
आंगार खेळयत,
रूखां न्हातालीं
चंवरांच्या गंधांनी.
म्हजें मन भिरभिरलें
शेंवण्याक सोदूंक लागलें,
अचकीत...
एक शिळवण आयली
पयसुल्ल्या रानांतल्यान
आनी...
म्हजें मनय
उडोन गेलें
शेंवण्या फाटल्यान
वसंताचीं पांखां लावन.

66. आनी दार बंदच

हावें दार खटखटायलें
काळीज हातांत घेवन...
वेदनेचें दुख्ख व्हांवतालें,
दुकां जावन.
धाय दिकांनी पसरिल्लें
म्हजें मन..
एकठांय केल्लें म्हज्या पोशांत
पूण..
तुवें जाप दिली ना.
दार बंदच रावलें
म्हज्या पावलांच्यो खुणो
आजुनय तुज्या दारांत आसतल्यो
पूण तुका ताजें कितें?
म्हजें काळीज मात...
आजुनय म्हज्या हातांत आसा
कितलो तेंप...
आजुनय दार बंदच आसा.
हांव मात वाट पळेतां
सासणाची सासणां
उक्तें मळब आंगार घेयत!
एक मात केलां
काळजांत म्हजें सपन
रूजत घातलां.

67. गिन्यान

कित्याक बाबा सांगता गीता तूं मार झेतान
रितीं तांचीं पोटां मरे, तूं दिता गिन्यान!
सुकल्यात तांचीं हड्डीं मरे, आंगार ना चिरगुटां
पोटाक पडला फोंड तांच्या वडय दोन शितां !
हें तुजें गिन्यान तांकां उपाशीं पोटार नाका
फट मरे गिन्यान तुजें घांट वाजय नाका !
नाकात तुमचीं नाटकां, नाका तुमचें फुडारीपण,
भुंयेर तेंकोक जागो दी, माथ्यार इल्लो आसोर !
हातांत तुज्या झांज घेवन मृदंग बडयता,
कुडयेंत तांच्या प्राण ओतून सांग तुजी गीता !
तुमचो सर्ग, तुमचो नरक तांकां खबर ना
हांगाच तुमी थडीं बांदलीं तांची तुमकां खंत ना !
तांच्यो जिणो, तांचीं मरणां सरणाचेर सरतलीं
आसा प्राण तोवर दुकां जावन व्हांवतलीं !
प्राक्तनाचे भोग रे बाबा भोगूंकच जाय
जल्माक येता ताका संवसाराचें रीण फेडूंकच जाय !
कित्याक बाबा सांगता गीता, दवर ती बांदून
आसात शिता-गोटे तर दी तांका वाडून !

68. उजवाडाची शीम

बिण्ण अमास, किण्ण काळोख
आमोरे जिणेवेली साय
लिकलिकता एक काजुलो
मनाच्या कोनशांत, पिकल्या पानार
शिंवरायता उजवाड, ही एकूच सासाय.

बिण्ण अमास सरतली,
किण्ण रातीक उजवाडाची शीम गावतली,
ते शिमेर पावलां म्हजीं पडटलीं,
त्याच उजवाडाचे शिमेर
दिगंतरा पावतलीं
अमास म्हजी सोंपतली.

69. भूंय आमची गर्भार रे

भिर भिरी भिर भिरी
सरीर सरी पडटात रे
थिकटी थिकटी
रानांत मोर नाचतात रे.

धडाम धुडूम धडाम धुडूम
धोल ताशे वाजतात रे
कडाड कड, कडाड कड
कुपानी जोगलां फुट्टात रे.

सुसांट सूंऽऽ सुसांट सूंऽऽ
वारें पिसाट जालां रे
सळसळ सूंऽऽऽ सळसळ सूंऽऽऽ
रानापानां शिळोणी घुमतात रे.

धो धो घोगे, धो धो घोगे
कोसळत पडटात रे
दोंगर माथ्यार झरीन झरी
कुपां घागऱ्यो फुट्टात रे.

हा हा हूं हूं हा हा हूं हूं
सैमाआंगार आयलां रे
झड रे झड, झड रे झड
सर सर पावसा भर भर पड

भूंय आमची गर्भार रे
भूंय आमची गर्भार रे.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
833

70. घराफाटली मेर

म्हज्या घराफाटल्यान मरे
एक मेर गेल्या
फांतोडे दंवा भिजत
जांभळी मुळांतल्यान
पाण्ट्यार पावल्या
आंब्यावेलें शेंवणें
ल्हवूच शिळोणी घालता
म्हाका जाग येता,
मेरेवांगडा म्हजें नातें
शीं आंगार घेयत
पाण्ट्यार पावता.
आलतडीन पलतडीन
सैम सर्ग दाखयता.

71. मनीस...

एक काळोख
जिणेच्या उजवाडाचो अंत
उबो आसा
देंवचार जावन
मनीसपणाच्या काळजार.
ताणें उजो घातला
जळूंक लागल्यांत
नातीं गोतीं, धर्माचीं
जळपी सरणार.
आनी...
परतीं परतीं जल्म घेतात
देंवचार भुतां
काळीज नाशिल्लीं
त्याच सरणांतल्यान
धर्माचें सरण मांडूंक.

72. संवसार

संवसार एका खिणाचो
खिणाक रंग उडटा
दावणेक घरदार बांदून
घाम गळयत जगता मनीस.
मनीसपणाक येता हुंवार
बुडटा मनीस आनी,
बुडटां बुडटां
बडयेचो आदार घेयत
जिणेचीं मुळां धरून जगता मनीस
खिणाच्या संवसाराखातीर.
खिणाखिणाक जाल्ले घाये सोंसत
मनीस जालो घायाळ तरी...
हावेस जागयत जगता मनीस
पयस पयस खंयतरी, सरण ताचें
वाट पळेता मरणाचे वाटेर
आंगार खेळपी सुर्याक
लागता बिण्ण उमास
आनी...
चलत रावता मनीस सरणालागीं.

73. येवजण

ही सांजवेळावेली येवजण
अणभवाच्या खिणांची खाण
आमोरेचे वाटेर चलपी जिणेक
अस्तमेच्या रंगाचें न्हाण.

74. जुनेर

जिणेचे वयेचेर
एक जुनेर
पिराय सरिल्लें
फडफडटा वाऱ्यार
तापत्या वतार
तवनास दिसांची याद जागयत.
संवसाराची जाणविकाय
हुलपल्ली
जुनेरावरी विरविरीत
वाट पळेता...
वत सरपाची
आनी...
फडफडपी जुनेर गुटलावन...
लागीं करता
एक एक दीस
सुकिल्ली लज धांपीत.

75. जीण

जिणेची वात
पेटत आसा
काळोख सारून
जगत आसा
वत कडटा
आंगा खांद्यार
वज्याचो भार
पेलत आसा
कुडींत प्राण
झडत आसा
काळजांत कशी
घुस्मट आसा
मळब म्हज्या
दोळ्यांत आसा
उजवाडय आतां
सरत आयला
काळाचे वाटेर,
जिणेची वात
पेटत आसा
काळोख सारून
जगत आसा.

76. एकलो

सुखां भोगणाऱ्यांनो
तुमी सूख भोगलां
म्हाका दावणेक बांदून.
आयज...
सोंपोन गेलां सगळें
एकलोच रावलां हांव
त्या दिसा
शितां आशिल्लीं म्हजेकडेन
आनी तुमी...
नाचताले भोंवतणी
मोगाचो हारसो दाखयत.
आयज....
हांवें हात पसरल्यात
पूण...
उकत्या पोशांत कांयच ना
तुमी मात....
पयस उबे रावन
पळेतात म्हजी हुलपणी
देव तुमकां बरें करूं!

77. जाण्टो

घरामुकार
उबो आसा एक रूख,
रूखावेलीं पानां
आतां पिकूंक लागल्यात
पिकून पिकून तांबडीं जाल्यांत
आनी आतां, एक एक पान गळटा.
जाण्टो पळेतालो
बडयो जाल्ल्या पांयार...
उबो रावन, दाराक तेंकून,
रूखावेल्या पिकल्या पानांक
नियाळटालो.
आनी...
एक पान, तांबडें पिकें
जाण्टेल्याच्या दोळ्यामुकार
तुटलें...
भिरी भिरी करीत,
भुंयेर आयलें
अशी कितलीशींच पानां...
गळिल्लीं, सुकिल्लीं
वारो हुबयतालो.
आनी अचकीत...
जाण्टेलो,
आनीक जाण्टो जालो
उब्या उबो पिकलो.

पिकून पिकलें पान जालो
आनी...
हांवूय असोच गळटलों
असोच गळटलों...
म्हज्या सरणावेलो गोबोर
वारो असोच हुबयतलो
म्हणत...
जाण्टेलो भुंयेक तेंकलो.

78. मार्ग

मार्ग अज्ञाताचे...
अदृश्याचे वाटेवेल्यान
वचतच आसात
अदृश्याच्याच वाटेवेल्यान...
आयिल्लो हांव, मळबासकयल
धाय दिको मेकळ्यो आसून लेगीत
म्हजो मार्ग सोदीत आसां
मुकार मार्ग दिसता
अदृश्य जायत गेल्लो
हांव नदर पावयतां
पूण...
सोंपता एके देगेर
मार्ग खूब आसात
पूण म्हजो मार्ग...
म्हाकाच खबर ना, कारण...
हांव ज्या मार्गार उबो आसां
त्या मार्गार...
कोण एक आकांत घेवन जगता
कोण एक आकांताकच आपणायता
आनी....
म्हजो मार्गच एक आकांत जावन
आपलीच वाट सोदीत वयता.

79. सुवार्थाचें रान

एका मनशाक खंय पाळां फुटलीं
पोटांत तीं रूजलीं
काळजाभायर सरलीं,
काळजाभायर सरलीं तशीं
तांचो जालो एक खूब मोटो रूख जालो,
ताका लागलीं फळां
मनीस तीं फळां वांटत सुटलो
जांणी जांणी तीं खालीं
तांच्याय पोटांत तीं रूजलीं
पाळां फुटलीं
सगळ्या आंगभर जालीं
त्या मनशांचेंच आतां एक रान जालां
त्या रानाकय आतां पाळां फुटल्यांत
आनी त्या पाळांनी–मुळांनी...
सगळो संवसार गिळोन वडयलां...
तो मनीस...
त्या पाळा–मुळांत घुस्पोन गेला
तातूंतलोच एक जाला
आजुनय ताच्या पोटांत खंय
त्यो बियो रूजतच आसात.

80. पणटी

काजळ काळखांत
वणटीच्या कोनशाक
मिणमिणटा एक पणटी
चारय वटेचो काळोख
आंगार घेयत येवजिता,
हांवें कितलो उजवाड घातला?
काळखाक कितलो पयस दवरला?
बाबडेक खबर ना,
काळोख पयस गेलोच ना
तो वाट पळेता वाऱ्याची
वातीक वेंगेंत घेवपाची.

81. चिंतन

सोप्यार बसल्या बसल्या
हांव येवजितां –
भोंवतणी गुप्प काळोख
पयसुल्ल्या किर्र रानांत
काजुल्यांची जात्रा भरिल्ली आसता
वण्टीवयली मंद मेणवात
काळखाचो पड्डो पिंजत
थेंब थेंब जळत आसता
हांव पळेतां –
कितलीशींच पिशीं पिसोळीं
मेणवातीर घालून घेतात
मेणवात मात्शी चुरचुरता
परत मंद अशी तेंवत रावता
बाबडेक खबरय नासता
कितले प्राण तिचेर ओंपिल्ले आसतात
हो सैमाचो खेळ कितें?
त्या जिवाचें मोल कितें?
मेणवात बाबडी निश्पाप
त्या जिवघेण्या खेळाचो
तिका पत्तोच नासता!
अजाणतां पाप...
तिच्या पदरांत पडत आसता
उजवाड दाखयतां दाखयतां
आपूण मात थेंब थेंब जळत रावता.

82. फुडल्या जल्मात तरी!

तुज्या अंत:स्करणातलो उमाळो
म्हज्या काळजावेलो घावो
तुका केन्नाच कसो दिसलो ना
म्हज्या दोळ्यांतलो व्याकूळ भाव
तुज्या मनार पाझरलो कांय ना
म्हाका खबर ना, पुणून...
तुजो प्रत्येक श्वास मात,
म्हजे कुडीचो प्राण आशिल्लो
तेन्ना...
त्या प्राणाक जपपाचें
तुका केन्ना कळ्ळेंच ना,
जाल्यार...तुज्या सांगाताच्यो पावलांखुणो...
तुवें म्हज्या काळजार
खुंटयो कशो कित्याक रोमल्यात!
तुवें माळिल्लो सुरंगावळेसर
बावलो तरी,
आजुनय परमळटा,
याद जागयता
आनी...
दुकांक शीम रावना
तेन्ना...
हांव म्हणटा
आगो ह्या जल्मात ना पुणून...
फुडल्या जल्मांत तरी!

83. कोण एकल्याचें जगप

उबो उबो जल्म गेलो
हिशेब कितलो जालो
जिणेमळार रगता नात्यांक
सांवळी धरीत जगलो.
मळब कितलें उदार म्हजें
आकांताच्या काळजार हांवें,
जिणेकाडयो सारीत सारीत होम पेटयलो.
लोकांक कित्याक दुशण,
हांवेंच म्हाका धोल कसो बडोवन
ताळयो मारीत देवा फटयलो.
बडोवन बडोवन फुटलो तरी
जगपा आशेन फोंड भरलो
उबो उबो जल्म गेलो
हिशेब काळार जालो
उणें उणें करीत करीत
हांवेंच म्हाका नागडो न्हिदयलो.

84. पूत

आतां पुता परतो परतो
हड्डें फोडून रडटा कित्याक?
जिती जागती आसली तेन्ना
तुवें म्हळें मरना कित्याक!
आवयक तुवें मोगान केन्ना
घातला काय उलो
आतां कितें उपेग आसा
रडटा काडून गळो!
आवय तुजी आसली सासाय
तुजेर तिची उपाट माया,
तुज्या खातीर जळ्ळामळार
राबली तिची काया.
कितें पापया सोंसलां तिणें, तूं कितें जाणां?
खबर आसून सगलें वागलो तूं नेणा,
नवसा मागणें घालून तिणें, मागलो तुका देवाकडे
तुवें केलें जिणे बेजार, जाल्लें तिचें जितें मडें.
हाडां-पेडां पेंचून पेंचून फोडले जिवाघडे
तुवें मरे नाडून नाडून बांदलें तिचें थडें.
पुरो आतां रडलो तितको, घे तिका खांद्यार
चलत राव संवसाराची वाट पुता, जावन आतां जबाबदार.

85. भाटकाराली काज

हांवें बियो रूजत घातल्यो
वाट पळेत बसलों
काजू पणस लागतले
भुरगीं म्हजीं खातलीं.

दुर्गा भितल्ली काज भाटकाराली
खुदखुदून हांसताली
म्हाका पिसो म्हण्टाली
तिच्यो काजी दुकरां खाताली
काजयेन काज, काजुफेणयेक कुसताली
उरिल्ली मातयेभरवण जाताली.

बियो म्हज्यो रूजल्यो
शेकान शेक वाडल्यो
चंवरान फुलल्यो
व्हंकल कशो नटल्यो.

झाडां म्हजीं पाचवींचार
आंबो - काज पणसाभार
म्हाका खूब खोस भोगताली
भूंय म्हजी, म्हज्या उल्याक जागली.

गांवार हेडपी भुरगीं
आशेल्ली दृश्टी, कुल्यार काश्टी
सदांच येतालीं, झाडार फातर मारतालीं
काज-पणस, आंबो वडयतालीं
पोटभर खातालीं.

भाटकाराली काज, दुर्गा भितल्ली
म्हाका म्हणटाली -
'पिसो रे पिसो, सामको पिसों
वाड्यावेलीं भुरगीं काजू-पणस खातात
फातर मारतात, कांयच उलयना कसो!'

हांवें ते काजूक म्हळें,
'म्हज्या मनाक दुरीग ना
झाडांक तर नाच्च,
तुज्या भाटकारालें काळीज
दुर्गा फातोर,
घरा वांशेपसून माजोर
भाटकार तुजो -
कुळांक घाम काडून
वयल्यान तांकांच नाडून
काजून काज बुडून तोडून
सोऱ्याफेणयेक जोडटा
फेणयेंतूच बुडटा
शापोतां कोणाक सांगता?

वाड्यावयलीं भुरगीं
धीट बरीं जाल्लीं,
म्हाका विचारून फातर मारतालीं
वयल्यान खुदूखुदू हांसतालीं.

भाटकाराली काज,
काजू भारान लकिल्ली
पूण, लजेन बागवल्ली
मायेक आशेली
म्हाका म्हणूटा
'आरे, म्हजे काजूची एकूच बी,
तुज्या पोरसांत लाय रे!

86. ती बडी, एक फिनिक्स

ती बडी...
अत्याचाराचो घोंट पिवन
जिवीत जाली
अन्यायाच्या, हिंसेच्या
फातरकाळजार पाय रोमून
अहिंसेच्या मार्गार चलूंक लागली.
ती बडी...
अर्पीत जिवनाचें जिवीत रूप
एक पोसवण, आत्मदर्शन
एक स्थितप्रज्ञ विभूती
सत्याग्रहाची चुट्टी पेटोवन
युगांतराचें परिवर्तन करूंक लागली.
ती बडी....
वज्रदेही दिव्यास्त्र
लोखणाकय फोडपी
मोनेपणान झुंजपी, आत्मबळ घेवन
स्वतंत्रतायेच्या होमकुडांत अर्पून घेवंक लागली.
ती बडी...
महामानव महात्मा
संवसाराचो आदार
पुणून...
स्वतंत्रतायेचे वेदीचेर
मनीसकायेकच भार जाली.

Konkani Language & Cultural Foundation (R.)

एक गुळी, एक फार, काळीज हुलपायत गेली
आनी...
ती बडी...
‘हे राम’ म्हणीत हुबली
संवसाराचें काळीज चिरीत
थेट शिमेपार जाली
ती बडी...
एक ‘फिनिक्स’ !

87. हातावेलें मळब

हातार खंय नशीब आसता
रेगांनी भरिल्लें,
ज्योतिशानय बी तशेंच सांगिल्लें.
एकान सांगिल्लें –
'बेटा तुम बहोत तकदीरवाले हो!
नसिब चमकेगा।
तुम्हारा हात बोलता है।'
आनी एकान सांगिल्लें –
'अहो, काय भाग्यवान आहात हो तुम्ही!
अशा रेखा फार थोड्या माणसांच्या हातावर असतात बघा!'
म्हाका खूब अजाप जाल्लें
आशिल्ले नाशिल्ले दुडू
ज्योतिशाच्या कपलार मारिल्ले
आयज हांवें आपणेच हात पळोवचें थारायलें
पळयत जाल्यार...
कितल्योश्योच रेगो
हे वटेन ते वटेन पळटाल्यो
सामक्यो एकमेकांत घुस्पल्ल्यो
त्या ज्योतिशांक म्हजें नशीब
ह्या घुस्पिल्ल्या रेगांक खंय दिसलें,
देवाक बावड्याक खबर!
म्हाका दिसलें ते खुबशे त्रिकोन, चौकोन
सामकें जाळें.

तरीय हांवें बारकायेन पळेलें
आनी अचकीत...
एका त्रिकोनांत चंद्र दिसलो,
करतां करतां नखेत्रांय दिसोंक लागलीं.
आनी मागीर...
त्या प्रत्येक त्रिकोनांत, चौकोनांत
दिसत त्या बुराकांत...
कितलेशेच चंद्र आनी सुर्य दिसोंक लागले.
पाडपडिल्ले राहू, केतू, शनीय
एकदम उदेले,
सगळें मळबच हातार देंवलें.
तेन्ना म्हाका कळ्ळें
म्हजें नशीब
त्या हातावेल्या मळबासकयल
चेपून गेलां
सोदूनय मेळचें ना
राहू, केतू, शनी मात
फाटीं लागतले आनी
पळटां पळटां म्हजे हात
भुयेक तेंकतले.

४४. तेन्ना बरयल्लीं मुळाक्षरां

तेन्ना बरयल्लीं मुळाक्षरां
जिणेच्या रूखाचीं मुळां
मुळां सारखी रूजलींच नात
अक्षरांक आकार मेळ्ळोच ना
आकार नाशिल्लें जिवीत मात
सैरभैर हुबलें
पूण...
मोडांत तिगलें
तेन्ना फुटिल्ल्या म्हज्या...
प्राणाचे दोळे
आजुनय कुड्डुयाभशेन
काळोखच सांसपिताले
आनी...
अचकीत एक दीस...
भायर पानां सळसळ्ळीं
सैमाच्या स्वासाचें हें संगीत
कानांर पडलें मात,
मुळाक्षरांक आकार येयलो ना जायत
पूण...
हें संगीत म्हाका कळ्ळें
कोगळा गीत,
म्हज्या मनांत रूजलें.

89. श्रावण धारो

कोण जाणा खंयचे राना, गाय रे हांबेता
मार रे उलो मार, रे राखण्या ! पाडकूं गाये आशेता!
श्रावण जालो पाचवो! पाचवे न्हेसलो मुकटो!
वाऱ्याक आयलो भार रे राखण्या, रानान रानां खुदलो!
जोगलान चाबूक ओडलो, कुपांक झोडून काडलो
दोंगर जालो म्हादेव रे राखण्या ! माथ्यार गंगा न्हालो!
व्हाळा्न व्हाळ दोंगरामाळो, धर्तरीक प्राण मेळ्ळो
गर्भांत किल्लून फुटलो रे राखण्या, मळबाक वेंगून बसलो!
मोराक आयलो ताल, निळ्या दोळ्यां शाल
सैमा मोगान फुलल्लो रे राखण्या, कृष्ण आमचो नाचलो !
कोण जाणा खंयच्या राना, गाय रे हांबेता
मार रे उलो मार, रे राखण्या ! पाडकूं गाये आशेता.

90. म्हजें उजवाडाचें घर

दिश्टाव्याच्यो दिको
म्हाका आपयतात
पयसुल्लें म्हजें घर
उजवाडान भरिल्लें
आकांताचे आसक्तीन
हातांत घेवन प्राण
दिकांवटेन हात पसरून
हांव धांवत आसां
कितलेशेच सूर्य उदेले
अस्तमेचे रंग काळखांत सरले
पूण म्हजो दिश्टावो
अशें दिसता,
मळबाचे देगेर तरी
आसूंक जाय!
म्हजें उजवाडाचें घर,
म्हाका मेळूंक जाय
आनी....
नाच्च मेळ्ळें जाल्यार
त्या घराच्या आंगणांत...
म्हजें सपन तरी फुलूंक जाय!

91. हरे कृष्ण, हरे राम!

आयज...
राम, कृष्ण, ख्रिस्त खंय आसात?
आरे
ज्या खुरसाक खिळे मारिल्ले
ते रक्ताळिल्ले खुरीस
जळामळार उबे आसात, बेवारशी
ख्रिस्ताचे घावे मात
आजूनय ओलेच आसात.
आतां मनीस
कितलेशाच ख्रिस्तांक खिळे मारता,
मात
आतां खुरसांची तांकां गरज ना
आयज
कबीराचे 'दोहे', राम, रहिम, खंय आसात?
कबीराच्या कंबरीचो
चिऱ्यान चिरो खणून काडीत
'गर्वसे कहो हम हिंदू है' किळांचत
गुडयो उबारणारो मनीस
रामायणाचीं पारायणां करता
फांत्यापारार सुर्याक जागयतां
सुदर्शन चक्रांतली जोगलांय आतां
थंड जाल्यां.
गीता एकलो कृष्णच जाणा

भयणींचीं वस्त्रां वाऱ्यार हुबयताना
घुस्मटलेली कश्टी अब्रू
विटंबना सोशीत दुकां व्हांवयता
आनी
नागडो उगडो मनीस, निश्कर्मी
निश्काम संत
टाळ, मृदंग करीत आड्डुता
'हरे कृष्ण, हरे राम, हरे कृष्ण, हरे राम!'

92. पडबिंब

सगळेंच कशें रितें रितें
आसूनय जाग्यार नाशिल्लें
पडबिंब
अंतरात्म्याचें!
अनंताचें!
हांव सदांच सोदतां
म्हजें पडबिंब
त्या अनंतात
कशें दिसता म्हाकाच खबर ना,
पूण...
एक जाणीव्र मात जाता
आकांताचीं ल्हारां उसळटात
आनी
म्हजें फुटिल्लें तुटिल्लें पडबिंब
आकार नाशिल्लें
जाण दिवन वेता,
बाबा रे
सगळेंच रितें आसता
अनंताच्या हारशात पडबिंबांच आसतात
खिणाक दिसतात, खिणाक सरतात.

93. एका रानाक वाट जाय

त्या दिसा रानाक जाय आसलेली,
एक वाट...
दोंगोर पिशी
घरा ओडयेन धांवणारी
पाडकांक आशेल्ल्या गोरवांक
दिस्त घराकडेन पावयणारी
ते वाटेर जाय
राखण्यांच्या उल्यांचो साद
पिल्लुकेचो नाद
पावलां पावलार कोगूळ गितांचो
मैफिलीचो बाज
आनी
त्या पिशा रानांतले
वाटेक ज़ाय,
किरमिजी फांतोडेच्या दंवाचें न्हाण
ओंवळा-चान्याचो, चंवरां - शिंतोड्याचो
म्होंवाळ म्होंवाळ साज
वाऱ्या ल्हारांचो नाच.
अशा त्या सैमान परमळिल्ल्या
पिशा रानाक जाय
एक पिशी वाट
आडांमुळां घुस्पत
रानांतल्यान धांवणारी
देऊळथळा पावणारी.

94. घावो

रंद्रांनी फुटिल्ली जोगलावणी कळ
रगतान मांखिल्ले जिणेक लागून
मळबातळा रूजली
आनी
काळजा फुटिल्ल्या
कोमऱ्यांच्या रूखार
जंळमटांच लागलीं.
हीं जळमटां
झडून झडचीं नात देखून,
मारिल्ली किळांच
तोंडांतच अंदली
आनी
परत एके फावटी
रंद्रांनी फुटिल्ली जोगलावणी कळ
काळजार घावोच दवरून गेली.

95. घोंटेर केन्ना बांदतली?

तुगेली व्यथा
सदांच म्हज्या सांगाता
येता त्या रानांत
पयस दोंगरा थळा
तुका खबर आसा
झाडाझाडार चित्रायल्ली मोगा नांवां
पयसुल्ल्या त्या रानांत
आजुनय आसात.
म्हाका याद आसा
ते रानगंधी दीस
तुज्या म्हज्या वेंगेंत
गुंथून कशे रावताले
काळाचें भान कशें ना जातालें,
आमी पळयल्ले न्ही
ते शेवण्या घोंटेर, तीं चिवचिवपी पिलां
तांकां भरयणारी ती इल्लीशी चोंच
आनी कितें कितें येवजिल्लें.
तुका याद आसुंये
आनीक एक घोटेर बांदिल्लो
आमच्या फाल्यांच्या पिलांचो
हाची जाण त्या झाडाकय आसा, रानाकय आसा
पूण आयज
झाडाझाडार घोंटेर आसात

फकत आमचो एकूच घोंटेर ना.
केन्ना, केन्ना
आमची सदांचीच ती वाट
म्हाका त्या रानांत घेवन वेता
झाडांवेलीं चित्रायल्लीं नांवां
आजुनय तशींच आसात
आनी...
रान म्हाका म्हणटा,
'आरे, तूं एकलोचसो आयलो,
घोंटेर केन्ना बांदतलो?'

96. दिगंतर

अध्यात्म्याचे वाटेर खंय
दिगंतर आसा अशें म्हणटात,
मनांत आयलें सोदचें.
मागीर कळ्ळें, ध्यान करचें पडटा
दोळे धांपचे पडटात,
मन एकाग्र कांय कितें तें,
करचें पडटा
म्हूण ध्यान करचें थारायलें.
दोळे धांपले
सगळे वटेन काळोखच काळोख
मन एकाग्र कांय कितें तें केलें
कांय कळ्ळेंच ना, दोळे धांपिल्लेच उरले
मनांतल्या एका कोनशाक मात
कोणेय तरी जाप दिली,
'आरे, रांदन भितर कुडकुडटा
पोटाधग उफेता आनी –
आतांच तूं तांकां दिगंतरा पावयता?'
हावें तट्ट करून दोळे उक्ते केले
पूण एक मात कळ्ळें
निकटें दोळे धांपून दिगंतर मेळना
पोटाधग तर सोडाच,
पूण....
लासून गोबोर जालोय तरी
कांय कळचें ना!

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001652

97. फोंडकूल

रूखातळा पडिल्लें
थेंबो थेंबो एकवटान
उपाट भरिल्लें,
इल्लेशें तें फोंडकूल.
कोण जाणा इल्ल्याशा त्या फोंडकुलाक
खंयचें वारें भरलें
पिशाभशेन उलोवंक मरे लागलें,
'उब्या उबें सगळें मळब खंय -
आपणे लिपयलें!'
इल्लेशें तें फोंडकूल
आपली जातकुळीच विसरलें
सुर्याकय वरचड उलयलें.
सुर्याक जालें अजाप मरे .
ताणें हांसून पळेलें, म्हळें -
'आगो, तूं दर्या केन्ना जालें?'
फोंडकुलाचें पिशें आतां माथ्याक मारिल्लें
'आरे, दर्या गजाल सोड -
हांवें मळब रिगयलें, तूं तर तिळो!'
'पळय बाये, हांव तिळो तर खरोच -
पूण तुका खबर आसा मूं, हांव उजागुळो?'
'उजागुळो आसूं रे , करता कित्याक नेट.
म्हज्यालागीं यो मरे, रोकडो जातलो थंड.'
सुर्या आतां आयकता,

सुर्या मारली तिडक
देंवलो सडसडीत सकल
फोंडकुलाक कळचे पयलींच
फोंडकूल खडखडीत!

WORLD KONKANI CENTRE • MANGALORE • AMBEKA

98. मन जालें मळब

मनान थारायलें, मळबाक मेळचें,
मळब सोदूंक गेलें, मळबच जालें.
मळब उजवाडाचो दर्या, खर सुर्या
सुर्याघरांत रिगलें तशें सुर्याच जालें!
अस्तमेच्या वाटेवेल्यान दर्यात बुडलें,
वयर जशें सरलें तशें चान्ने जालें,
करतां करतां मिर्गावारें आयलें
जोगूल कशें पेटलें, मळबभर फुटलें
कुपांघडे जाले आनी पावस जावन झडलें.
पावस जावन झडलें तशें –
आंकूर अंकूर आंकुरलें –
पाचवेचार रान जालें –
वाऱ्यावांगडा ल्हान जालें –
दिकान दिको परमळ्ळें
आनी मळबाच्याकय व्हड जालें!

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
833

Foundation (R.) ★ Ko
Culture & Language

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : पनसांज
(कविता संग्रह)

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ________________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

चंद्रकांत नायक

जल्म : ३० डिसेंबर १९३२

जल्मगांव : आमोणें, केपें, गोंय

सद्‌द्याचो राबितो : विरार, मुंबय

शिकप : मॅट्रीक

वेवसाय : फोटोग्राफी

छंद : चित्रकला आनी वाचन



राजाई प्रकाशन